# जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा

# Jaimala Dhanayat Hanchaya Kathani Chitraile bail Pratima

A Dissertation for

Course Code and Course Title: KON-650

Credits: 16

Submitted in partial fulfillment of Master's Degree

Master's Konkani

By


**Miss. SUDHA KALIDAS NAIK**

Seat Number: 22P0180031

ABC ID: 921495263608

PRN: 201904270


Under the supervision of

**Mrs. SANIKA GAONKAR**


SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE GOA UNIVERSITY

DISCIPLINE KONKANI



**Goa University**

**April 2024**

# जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा

# Jaimala Dhanayat Hanchaya Kathani Chitraile bail Pratima

A Dissertation for

Course Code and Course Title: KON-650

Credits: 16

Submitted in partial fulfillment of Master's Degree

Master's Konkani

By


**Miss. SUDHA KALIDAS NAIK**

Seat Number: 22P0180031

ABC ID: 921495263608

PRN: 201904270


Under the supervision of

**Mrs. SANIKA GAONKAR**

SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE GOA UNIVERSITY

DISCIPLINE KONKANI

**Goa University**

**April 2024**

**Examined by:**

**Seal of the School**

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that data present in this Dissertation report entitled, **"जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा" (Jaimala Dhanayat Hanchaya Kathani Chitraile bail Pratima) is** based on the results of investigations carried out by me in the Shenoi Goembab School of & Languages & literature Konkani department, of goa university. under the Supervision of Ms. Sanika Gaonkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

SUDHA KALIDAS NAIK

Seat no 22P010031

Date:

Place: Goa University, Taleigoa , Goa.

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **"जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा"** is a bonafide work carried out by Ms. SUDHA KALIDAS NAIK under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of Master's of Arts In Konkani in the Discipline Konkani Department at the Shenoi Goembab School of & Languages & literature Konkani department, of Goa university

16/04/2024

**MS. SANIKA ASHOK GAONKAR**

Prof. Anuradha Wagle

Dean, shenoi Goembab School of

Languages & literature

GOA UNIVERSITY ★ TALEIGAON PLATEAU ★ SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE

School/Dept Stamp

Date:

Place: Goa University, Taligoa, Goa .

## प्रस्तावना

साहित्य हो समाजाचो हारसो. साहित्याचा आधारान समाजातल्या दर एकां घडणूकेचेर भाशय करप जाता. साहित्य खुब तरांचे आसता देखीक कथा, कविता, नाटक, निंबद आदी.. दर एकां साहित्य प्रकाराचे आपले अशें खाशेंलपण आसता. हे साहित्य प्रकार जण एकल्याच्या आयुषात म्हत्वाचे आसतात.

कथा हो साहित्य प्रकार लोकांक खूब लागीचो आसता. वाचप्यांक हो प्रकार खूब मानवतां. हो साहित्य प्रकार ल्हान आसलो तरी तांतूतल्यान कसलें विशय हाताळप जाता ते मागीर सामाजीक, राजकी, कुटूंबातले वा सर्वसामान्य मनशांच्या जिणेच्या घडणूकांचे आसू येता. मनशांतलें मनीसपण हेरून ताचेर उजवाड घालप आनी सत्य उकळासून धरप, समाजांत जें कितें घडटा ताचेर उजवाड घालप, बुरशें परंपरे आड वाचप्यांक विचार करपाक प्रवृत करप असले तरेच्या गजालीचेर उजवाड घालपाक कथाकार कथा बरयता. कथा म्हूण आकार घेवपाक खाशेले घटक जाय आसता. तेन्नाच ती कथा म्हणून नांवा रुपाक येता.

कोंकणीत अशें खुबशें कथाकार आसा जे सात्यतान आपले लेखन करित आसता. आनी कोंकणी साहित्यात आपल्या लेखनाची भर घालीत आसा. देखीक दामोदर मावजो, पुंडलीक नायक, गजानन जोग, शीला कोळंबकार, मीना काकोडकार ह्या कथाकारांनी कोंकणी कथेची बरे तरेन पोसवण करून तिका एक दिशा दिली.

तशींच एक जेष्ठ लेखिका जयमाला दणायत हांणी आपल्या लेखकनांतल्यान कोंकणीक खूबशें योग्दान दिलें आसा. कथा, बालसाहित्य, निबंद अशें साहित्य प्रकार हाताळ्ळयात आनी कांय पुस्तकांचो अणकार लेगीत केलां. तांचे कडेन स्वताची अशी खाशेली बरोवपाची शैली आसा, कल्पकताय आसा, विशयांचो अभ्यास आसा. अणभव आसा. आनी सगळ्यांत म्हत्वांचे दुसऱ्यांचे मन, तांची भावना समजोन घेवपाचें संवेदनशील मन

आसा. आनी एक लेखक संवेदनशील आसप हे खूब म्हत्वाचे तेन्नाच तांची साहित्यकृती बरी जाता.

कथानी लेखिकेन आपल्या जिणेंत घडिल्ले अणभव झळकता. विशय जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रयाल्ली बायल प्रतिमा. तांच्या चार कथा संग्रहांचो अभ्यास हांगा जाला. कवासो, सांज-सांवळी, झोंपाळो, आनी मरण काळ. ह्या चारूय कथानी बायल ही केंद्रबिदु आसा. तशेंच सामाजीक, आधुनिक, आदल्या काळाचे वर्णन, बायलाचे त्रास, कश्ट, तांचे जिणेतले दुख घडणूको आदी.. . त्याच तरेन भोगाची वेगळी वळना त्या-त्या प्रसंगाक धरून लेखिकेन मांडला. तांच्या चडश्या कथानी बायलेची प्रतिमा खुब उकत्यापणांत मांडला. कोंकणी कथानी बायल लेखिका जयंती नायक, माया खरंगटे, रजनी भेंब्रे, हेमा नायक, ज्योती कुंकळकार हांच्या कथांनी बायल प्रतिमा वेगवेळ्या रुपानी चित्रायल्या. तशींच बायल प्रतिमा जयमाला दणायत हांच्या कथांनी अभ्यासतना जाणवता. एक बायल मनशेंची संवेदनशील मन ती मांडटा, तिच्यो इत्सा-आंकाशा तिचे सुख-दुख सामके योग्य तरेन तिणे वाचप्यांच्या मुखार मांडला हे स्पश्ट जाता. बायल हो समाजाचो एक अतिशय म्हत्वाचो घटक. संवसारांत उदेवाक आयिल्ल्या सगळ्या संस्कृतायांनी आनी धर्मांनी तिका ल्हान वा व्हड प्रमाणांत जागो दिल्लो आसा.

पयल्या प्रकरणांत विशय प्रवेश, प्रस्तावना, सोद वावराच्या विशयाची फाटभूंय, सोद वावराचे हेतू, सोद वावराची परिकल्पना, सोद वावराची मर्यादा, सोद वावराच्यो पद्दती

दुसऱ्या प्रकरणांत बायलेचें चित्रण, बायल – व्याखा, बायल- स्वरुप आनी संकल्पना, समाजांत बायलेचें स्थान, कुटुंबांत बायलेचें स्थान, लोकसंस्कृतायेन बायलेचें स्थान. ह्या प्रकरणांत बायल म्हटल्यार कितें, समाज कुटुंब बायलेक कसो पळयता, तिकां तिचे स्वताचे स्थान आसा कांय ना हाचो अभ्यास ह्या प्रकरणात जाला.

तिसऱ्या प्रकरणांत जयमाला दणायत हांची व्यक्तीमहत्व आनी कार्य, जयमाला दणायत हांची जीण आनी वळख, जयमाला दणायत हांच्या कथेचेर भर, जयमाला दणायत हांच्या हेर साहित्य प्रकाराची वळख,जयमाला दणायत हांकां लाबिल्ले मान- पुरस्कार. ह्या प्रकरणात लेखिकेन आपली वळख कोंकणी साहित्यात कशीं मांडळा हे सांगला. कथाच न्हय तर हेर साहित्य प्रकार हाताळा आनी कोंकणीच्या दालनान आपल्या साहित्याची भर घातला.

चवथ्या प्रकरणांत जयमाला दणायत हांच्यो कथा आनी कथेंचे साहित्यीक घटक, कथानकां, पात्र चित्रण, संवाद, वातावरण, संघर्श, भास शैली, निवेदन शैली ह्या सगळ्यां घटकांचे तिणें आपल्या कथानी कशें वापरलां, तांचो कसो उपयोग केलां ते दिसता.

पांचव्या प्रकरणांत जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायल प्रतिमेचें निरिशण, हांतून, जयमाला दणायत हांच्या कथांतली बायलेचीं प्रतिमां, जयमाला दणायत हांच्या कथांतली आर्थीक नदरेन बायल, जयमाला दणायत हांच्या कथांतली समाजात जावपी अन्याय सोंसपी बायल, जयमाला दणायत हांच्या कथेंतली कुटुंबीक बायल, जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायली बंडखोर बायल,जयमाला दणायत हांच्या कथेतली पुर्विली आनी आर्विल्ली बायल, जयमाला दणायत हांच्या कथांतलो दादलो-बायल आंतरीक संबंद. ह्या प्रकरणांत बायलेची वेगवेगळी रुपांचेर उजवाड घातलां तशेच बायलेचेर जाले त्रास, तिचे उमाळें, तशेंच समाजात आनी कुटुंबात जावपी तिचेर अत्याचार. आनी ह्या अत्याचारांचो तिचेर जावपी प्रभाव. आनी ह्या सगळ्यांचो विरोध करपाक बंडखोर पणांत, आनी मुक्तपणांन आवज काडपी बायल दिसता.

सव्या प्रकरणांत जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायलांचे प्रश्न, सामाजीक प्रश्न, कुटुंबीक प्रश्न, आर्थीक प्रश्न. बायलेक समाजांत वा कुटुंबात वावुरतना ज्यो समस्या निरमाण

जाता. आनी त्या समस्याक ती कशीं फुडो करता. वा ती थंयच अडकून पडटा ह्या सगळ्याची जाप ह्या प्रकरणांत गावतली.

सातव्या प्रकरणांत समारोप, निश्कर्श आनी संदर्भ आसा. हो सोदवावर करून आनी ह्या विशयाची निवड करून जे मांडला ताचेर निश्कर्श आनी ह्या अभ्यासाची माहती एकठांय करपाक लागिल्ली पुस्तकां हांची मायती ह्या प्रकरणांत आस्पावित आसा.

## उपकार

कसलेय काम करपाक जाय जाल्यार खूब लोकांचो आदार घेवंचो पडटा. दुसऱ्याच्या आदारा बगर आमी आमचें काम पुरायपणान पुर्ण करपाक शकनात. खंयच्या खिणाक आनी घडयेक कोणाचो आदार घेवंचो पडत हे सांगपाक जायना. उपकार ह्या उतरांतल्यो भावना कितल्यो खोलायेंतल्यान आयिल्लो आसतात हे फक्त जाचेर उपकार केल्लो आसता ताकांच कळटा.

जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा हो प्रबंध म्हाका सादर करपाची संद मेळिल्यान हांव सगळयांत पयली गोंय विद्यापिठाचे मना काळजासावन उपकारी आसा.

हो विशय थारावपाक आनी हो प्रबंध करपाक म्हाका वेळोवेळ मार्गदर्शन  आनी हो पुराय सोदवावर निवळावन दिलेखातीर हांव सहाय्यक प्रा सानिका गांवकार हांचे खास उपकार मानता.

प्रबंध करताना जायती पुस्तकांचो संदर्भ लगता आनी ही पुस्तकां वेळात वापरूक गावल्या बदल हांव आमच्या विद्यापिठाच्या ग्रंथालयाचे आनी पणजेच्या ग्रंथालयात वावुरपी ग्रंथपालांनी पुस्तकां उपलब्द करून दिवपाक मदत केली म्हणून तांचे उपकार मागता. तशेंच गोवा कोंकणी अकादेमीन म्हाकां जयमाला दणायत हांच्या विशी माहती दिल्या बदल तांका देव बरें करूं.

ह्या सगळ्यांच्या मार्गदर्शनाचो फायदो म्हाका फुडारानूय जातलो. आनी हेर कोणाक ह्या विशया बदल माहती जाय जाल्यार तांका फाव ती मदत जातली अशींच आसत दवरता. आनी परत एकदा हांव काळजासावन सगळ्यांक देव बरें करूं म्हणटा.

## सारांश

जयमाला दणायत हांच्या कथांनी चित्रायली बायल प्रतिमा. ह्या विशयाचो प्रबंधिकेन अभ्यास जाला. जयमाला दणायत ही कोंकणीतली जेष्ठ लेखिका. कोंकणी साहित्याच्या मळांर आपल्या साहित्याची भर घातला. तांच्यानी कथा, निबंद, बालसाहित्य सारखे प्रकार हाताळ्यात. कवासो, सांज-सावळी, झोंपाळो, मरण काळ हे तांचे चार कथा संग्रह. ह्या चारूय कथा संग्रहानी बायल प्रतिमा कशीं चित्रीत जाला हांचो योग्य तरेन अभ्यास केला.

तांच्यानी आपल्या कथांनी कुटुंबीक, सामाजीक तशेंच बायलांचे विशय मांडला. तांच्यो तडश्यो कथा ह्यो कुटुंबीक विशया पुरत्योच मर्यादीत आसा. पुरुश प्रधान संस्कृतिक लागून समाजांत बायलांचेर घातिले नियम. आनी त्या नियमाक पळो करून बायलेची जाल्ली सतवणूक, तिचो मानसिक संघर्श, त्रास, सूख-दूख, तिचें उमाळें वेतां आदी.. कथांनी उक्त्यापणांत आयले पळोवपाक मेळटा. एकूण अस्तुरेचे भावविश्व कथांनी जाणवता. विशय मतींत दवरून ह्या कथा साहित्यात पुरतच मर्यादीत रावन ही प्रबंधिका पुर्णयतेक व्हेला.



## सारगर्भ उतरां

कोंकणी कथा, जयमाला दणायत, समाज, कुटुंब, बायलेचे भावविश्व, संघर्श, रूढी, बंडखोर बायल.

## मांडावळ

**प्रस्तावना..................................................................... i**

**उपकाराचीं उतरां..................................................................v**

**सारांश..............................................................................vi**

**सारगर्भ उतरां.....................................................................vi**

**प्रकरण 1 विशय प्रवेश.......................................................... 1-6**

1.1 सोद वावराच्या विशयाची फाटभूंय

1.2 सोद वावराचे हेतू

1.3 सोद वावराची परिकल्पना

1.4 सोद वावराचो आंवाठ आनी मर्यादा

1.5 सोद वावराच्यो पद्दती

**प्रकरण 2 बायलेचें चित्रण.....................................................7-20**

2.1 बायल - व्याख्खा

2.2 बायल- स्वरुप आनी संकल्पना

2.3 समाजांत बायलेचें स्थान

2.4 कुटुंबांत बायलेचें स्थान

2.5 लोकगितांनी बायलेचें स्थान

**प्रकरण 3 जयमाला दणायत – व्यक्तीमहत्व आनी कार्य...................21-27**

3.1 दणायत हांची जीण आनी वळख

3.2 दणायत हांच्या कथा साहित्याची वळख

3.3 दणायत हांच्या हेर साहित्य प्रकाराची वळख

3.4 दणायत हांकां लाबिल्ले मान- पुरस्कार

**प्रकरण 4 जयमाला दणायत हांच्यो कथा आनी कथेंचे साहित्यीक घटक..28-49**

4.1 कथानकां

4.2 पात्र चित्रण

4.3 संवाद

4.4 वातावरण

4.5 संघर्श

4.6 भास शैली

4.7 निवेदन शैली

**प्रकरण 5 जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायल प्रतिमेचें निरिक्षण ...50-68**

5.1 दणायत हांच्या कथांतली बायल प्रतिमां

5.2 दणायत हांच्या कथेंतली बायलेची आर्थीक स्थिती

5.3 दणायत हांच्या कथांतली समाजाचो अन्याय सोंसपी बायल

5.4 दणायत हांच्या कथेंतली कुटुंबीक बायल

5.5 दणायत हांच्या कथेंतली बंडखोर बायल

5.6 दणायत हांच्या कथेंतली पुर्विली आनी आर्विल्ली बायल

5.7 दणायत हांच्या कथेंतली बायल-दादलो आंतरीक संबद

**प्रकरण 6 जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायलांचे प्रस्न...........69-77**

6.1 सामाजीक प्रस्न

6.2 कुटुंबीक प्रस्न

6.3 आर्थीक प्रस्न

**प्रकरण 7 निश्कर्श..............................................................78-85**

○ **आदारावळ**

**परिशिश्ट...................................................................1-8**

# पयलें प्रकरण

## विशय प्रवेश

1.1 सोद वावराच्या विशयाची फाटभूंय

1.2 सोद वावराचे हेतू

1.3 सोद वावराची परिकल्पना

1.4 सोद वावराचो आंवाठ आनी मर्यादा

1.5 सोद वावराच्यो पद्दती

# प्रकरण 1 विशय प्रवेश

## 1.2 सोद वावराच्या विशयाची फाटभूंय

कथा हो ल्हान साहित्य प्रकार, सामको नाजूक आनी कठीन असो. कथेचें मूळ हें काणयेंत आसा. आदीं लोककाण्यो लोकांचे मन रिजोवपाचें आनी त्याच वांगडा लोकांच्यो जाणिवो जमोवपाचें काम करताल्यो. पयलींच्या काळांत जेन्ना साहित्य बरोवन दवरपाची परंपराच नाशिल्ली त्या काळांत काणी ही सांगपाची आनी आयकुपाची आसताली. उपरांत छापणावळिच्या माध्यमातल्यान काणी पुस्तकरूपान वाचप्यांमुखार आयली. सांगपी - आयकुपी संबंद सोपून लेखक वाचक हो नवो संबंद तयार जालो. पयलींच्या काळार महाभारत आनी महाभारतांतल्यो काणयो कुष्णदास शामा हांणे ताच्या सांगात्या बरोबर बरोवन काडिल्ल्यो. 1889 वर्सा एदुआर्द जुझे ब्रुन द सोझा हांणे उदेंतेचे साळक नांवाचें नेमाळें सुरू केल्ले. तांतुतल्यान कांय बरोवप्यांच्यो कथा उजवाडाक आयल्यो. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशेचो पयलो कथाकार अशें मानतात. 1935 वर्सा 'वोंवळा' नांवाचो कथा सग्रंह उजवाडाक आयलो. ह्या संग्रहा उपरांत 1955 वर्सा चंद्रकांत केणी हांणे 'भुंयचाफी' कथा संग्रह उडवाडाक हाडलो. अश्यो कांय आदल्यो कथाकारांच्यो कथा पळोवपाक मेळटात.

समाजांत बायलेक एका काळार दुय्यम स्थान दिवप जाताले. तिच्या भावविश्वाक, तिच्या विचाराक खंयच मान मेळनासलो. तिचो कोण विचार करिनासलें. आनी साहीत्यात लेगीत तिच्या भावविश्वा बदल बरोवप जाय नासलें. पुरुशप्रधान समाजवेवस्था आशिल्या कारणान बायलक चड मान दिनासलें. 1949 ह्या वर्सा फ्रेंन्च लेखिका सिमॉन द बॉऊयार हांणी स्त्री 'द सेकन्ड सेक्स' ह्या साहित्यकृतितल्यान बायलेच्या मनांत जावपी आंतरिक संघर्शाक, सामाजीक संघर्शाक वाचा फोडली. बायलेचे संवेदनशील मन समजोन घोवपाक

आनी पुराय स्त्रीवादाक एक नवी नदर दिवपाचे काम तिणे केले. तशेंच बायलांक आनी दादल्यांक समान हक्क तशेंच मानाची वागणूक मेळची असो उद्देश पुस्तकांत आसलो.

कोंकणीत अशें खुबशें कथाकार आसा जे सात्यतान आपले लेखन करित आसता. आनी कोंकणी साहित्यात आपल्या लेखनाची भर घालीत आसा. कोंकणी साहित्यांत बायलांचे विशय येवपाक लागले ते 1970 च्या उपरांत. ते ज्या पयली बायल ही अंलकार घालून, मनोरंजनांची व्यक्ति आदी.. मानून तिचेर लेखन जाताले. '1980 च्या काळांत चित्रगीचे वतीन बायलांचे साहित्य मेळ गावांगावांनी घडून आयले तेन्ना बायलांक हे पारखणेची नदर आयली आनी तातुंतल्यान उलोवपाचें धाडस आयलें आनी तेन्ना सावन स्त्रीवादी साहित्याकडेन एके वेगळे नदरेन पळोवप जावपाक लागलें'[1]. बायलांचेर बरोवपी कांय मोचकेच लेखक मेळटा जे बायलांकचेर आधारून आपले साहित्य रचता. तांतून बायल लेखिकांचो आकडो चड प्रमाणात आसा. कोंकणी कथांनी बायल लेखिका जयंती नायक, माया खरंग्टे, रजनी भेंब्रे, हेमा नायक, ज्योती कुंकळकार हांच्या कथांनी बायल प्रतिमा वेगवेळ्या रुपानी चित्रायली पळोवपाक मेळटा. तांतून जयमाला दणायत हांच्यानी आपल्या कथानी बायलेचे भावविश्व चित्रायला.

साहित समाजाचे पंडबिब, समाजात जे कितें जाता ते साहित्यात येता. सर-भोवंतणचे, प्रसंग, घटना, हांचे निरिक्षण करून वास्तविक घडामोडणीचेर लेखक आपली कल्पकता वापरून जे साहित्य रचप जाता ती साहित्यकृती. वास्तवेकचो विचार करता तेन्ना बायल ही समाजात येताच. देखून कथा साहित्य प्रकारातून न्हय तर कांदबरी, कविता, निबंद, नाटक सारखिल्या साहित्य प्रकारांनी लेगीत पंडबिब जाली पळोवंक मेळटा. बायल आपल्या वेग-वेगळ्या रुपांक घेवन ती मागीर बायल आवय, धुव, सून आदी.. चित्रीत जाता. तशेंच तिचे कर्तव्य, नातीं हे सगळें कथांनी चित्रीत जाता. बायलेचे उमाळे, सूख-दूख तिचे त्रास एकूण तिचे संवेदनमन कथांनी पळोवंक मेळटा.

## 1.2 सोद वावराचे हेतू

जेष्ठ लेखिका जयमाला दणायत हांच्या साहित्य कृतीची वळख जातली. तांच्या कथेंत आयले वेगवेगळे विशय स्पश्ट जातले. देखीक समाजीक,आधुनिक आदी.., कथेंतली बायल प्रतिमा कशीं चित्रायला तशेंच बायलेच्या वेगळ्यां- वेगळ्यां रुपांचो अभ्यास जातलो. बायल मनांचो संघर्श तिची मानसिकता कथानी आयला हे स्पश्ट जातलें.कथेंतल्यान मानवी मुल्या स्पश्ट जातली. समाजातल्या वायट रूढी-परपरांचो तशेंच आदुनिकरणाक लागून बदलतती समाज मानसिकता स्पश्ट जातली. लेखिकेची बरपाची तरां, निवेदनशैली, कथानी आयले वाक्यप्रचार, म्हणी हांचेर उजवाड घालप जातले.

## 1.4 सोद वावराची परिकल्पना

जयमाला दणायत हांची विस्तारान वळख जातली. तिच्या हेर साहित्याचो अभ्यास जातलो. कथेंतल्यान सामाजीक विशय व्यक्त जातलें. अस्तुरेचे भाव विशव व्यक्त जातले. पात्रांच्या मानसिकतायेचो अभ्यास जातलो. नात्यानी आयले बदलाव, भेदभाव कशें जाला हे स्पश्ट जातलें.अंतर जातीय लग्नाक लागून जाले त्रास, हाजेर उजवाड घालप जातलो.

## 1.3 सोद वावराचो आंवाठ आनी मर्यादा

जयमाला दणायत हांणी हेर साहित्य प्रकार हाताळा पूण तांच्या कथा ह्या साहित्य प्रकाराचो अभ्यास जाला. जयमाला दणायत हांच्यो खुबश्यो कथा आसा ज्यो दिसांळ्यानी, म्हयन्याळानी आयलो. पूण तांच्यो ज्यो पुस्तक रुपांत प्रकाशीत जाला तांचो अभ्यास जाला. कथांनी आयिल्या समाजीक, आधुनीक, बायलेचे त्रास आदी..तशेंच समाज

परिर्वतन कशें जाता ह्या तासांक धरून अभ्यास जाला. कथांनी बायल प्रतिमेचे निरिक्षण जाला.

### 1.4 सोद वावराच्यो पद्दती

निरिक्षणात्मक पद्दत, सर्वेक्षण पद्दत– मुलाखत आनी प्रस्नावळ. ओनलाईन माध्यम. संदर्भान्वयी अभ्यास पद्दत. मराठी, हिंदी भासांतले संदर्भ पुस्तका वापरप जाला. मायती एकठांय करून तांचे विशलेशण केला.

**संदर्भ**

1) नायक, हेमा. *कोंकणी साहित्यांत अस्तुरेची प्रतिमा*. अनन्य. नायक,जंयती. पणजी-गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, जुलै-डिसेंबर,2014,पा. 180.

2) गांवकार, भालचंद्र. *साहित्याच्यो तरां साहित्य एकभासभास*.बेताडे-फोंडे-गोंय : प्रकाशक मित्र, 1998.

3) मावजो, दामोदर, कथा एक नियाळ. कोंकणी भास. साहित्य आनी संस्कृती. वेरेंकार, श्याम , सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकार( संपा मंडळ ), कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विघ्यानगर, मंडगांव, गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003,23.

4) बुडकुलें, किरण. *अक्षर सरिता*. आगाशीं गोंय : बिम्ब प्रकाशन, 2009.

5) नायक, हेमा. *सहजीवन संघर्श, समन्वय आनी प्रतिमा*. फोंडे-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन,1989.

6) दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.

7) दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014

8) दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016

9) दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020

# दुसरें प्रकरण

## बायलेचें चित्रण

2.1 बायल - व्याख्खा

2.2 बायल- स्वरुप आनी संकल्पना

2.3 समाजांत बायलेचें स्थान

2.4 कुटुंबांत बायलेचें स्थान

2.5 लोकगितांत बायलेचें स्थान

## 2.1 बायल- व्याख्या

1) A women is the full circle. Within her is the power to create, nurture and transform.

- Diane Mariechild

बायले कडेन नव्या जिवाक जल्माक घालपाची तांक आसता. तिचे कडेन सुर्जन शक्त आसता.

2) 'A women is not something but everything'[1].

- बायल म्हटल्यार एक वस्तू कशीं न्हय, बायल म्हटल्यार परिपुर्ण.

3) 'प्रत्येक क्षणी 'त्याग देवतेच्या' भूमिकेत असणारी कलाकार म्हणजे 'स्त्री''[2].

-गौरव धारवें

- बायल आपल्यो इत्सा, आकांशा मारून उडोवन सदांच दुसऱ्याचो विचार पयली करता. आपले सूख त्याग करपाक फाटी रावना, तिच्या भितर हो त्याग करपाचो गूण आसताच.

4) 'जबाबदारीच्या काटेरी कुंपणात अडकलेली, स्वत: पेक्षा जास्त कुटुंबाला महत्व देणारी, प्रतेक क्षेत्रात स्वत: च अस्तित्व साध्य करणारी आणि अहिंसात्मक प्रतीक असलेली प्रत्येक प्रेरणा म्हणजे स्त्री'[3].

- गौरव धारवें

- बायलेचेर जबाबदारी आसता. आपल्या भुरग्यांचे आपल्या कुटुंबाचे तिकां सगळें पळोवचे पडटा. स्वताक म्हत्व दिवचें साणून तीं कुटुंबाक पयली म्हत्व दिता. बायल कसले काम योग्य तरेन करू शकता. आपल्या कर्तुवान हेरां खातीर प्रेरणा दिव शकता.

5) प्रत्येक स्त्री को पुरुषों की तरह अधिकार प्राप्त हो, क्योंकि स्त्री ही पुरुष की जननी है, हमें हर हाल में स्त्री का सम्मान करना चाहिए.

- राजा राममोहन राय

- बायल ही नवों जल्म घातला, बायल सृष्टीची जन्नी आसता. तिच्या पासून वशं फुडें वचपाक पावता. तांका लागून बायलेक मान दिवपाक जाय तिकां आदर करपाक जाय.

6) जीवन की कला को अपने हाथों से साकार कर नारी ने सभ्यता और संस्कृति का रुप निखारा है, नारी का अस्तित्व ही सुन्दर जीवन का आधार है.

- ज्ञानी पण्डित

- बायले कडेन जल्मापासून कला आसता. आपल्या संस्कृतीविशीं, सभ्यताविशीं आदर आसता. आनी बायलेक मान दिल्लो जाल्यार प्रतेक मनशांचे जिवन सुदंर तरेन फुडें वयतलें.

## 2.2 बायल – स्वरुप आनी संकल्पना

बायल म्हळ्यार मनशाच्या स्त्री रुपाक जे स्त्री लिंगी आसता तशेंच पुराय बायलांचो वर्ग दाखोवपा खातीर वापरता.'बायल ह्या शब्दाचो उच्चार कोंकणीत अस्तरी, अस्तुरी, अस्तोरी, अस्त्री, वस्तरी, वस्तूरी, नार, नारी, स्त्री उतरां घोळणुकेन आसां. कोंकणीत बायल हें उतर 'बाय' ह्या उतराक 'ल' हें अक्षर जुळून घडलां. बाय हें उतर कोंकणीत दोन अर्थान वापरलां एक चली जाल्यार दुसऱ्या अर्थान तें परिपूण बायलेक, म्हणजे लग्न जाल्ले बायलेक उद्देशून म्हणटा'[4]. बायल उतर जेन्ना घडलें तेन्ना पतीण असोच संकुचीत अर्थ ताका आशिल्लो उपरांत ताका बायलमनीस असो व्यापक अर्थ जालो.

मराठीत स्त्री, बाई नारी. हिंदीत महिला, औरत. जाल्यार इंगलिशीन 'women' असो जाता. 'आर्विल्ले जर्मन आनी इंगलीश भाशेंत जल्म दिवपी आध्यजर्मनी भाशेंत मनीस म्हळ्यार सादारपणान लोक. दादल्या मनशाक 'वेरमन' आनी बायल मनशाक 'वाइफमन' अशें म्हणटाले. 'बायल हें उतर 'wifman' पासून आसलां अशें म्हणटा'[5].

स्त्री हें संस्कृत उतर वेदीक युगांत प्रसिध्द आशिल्लें ताच्या अपभ्रंशांतल्यान अस्त्री, अस्तरी, अस्तुरी ही उतरां घडल्यांत. स्त्री चो उल्लेख सुदंर बायल असो जाता - हाचो उलेख शिवपुराणात जाता. नारी वा नार उतर नर ह्या उतरापसून नारी हे उतर घडलां. 'नारी उतरापसूनच उलोवपाचे बोलयेंत नार उतर जल्मलां. 'नृ+ अस्+ डीप= नारी, नर+ डीप+ नारी'[6]. सामान्य भाशेंत नर हें उतर दादलो( man) ह्या अर्थान घेतात आनी ताका धरून नारी म्हणजे बायल (women) असो अर्थ आपणायला. न अरिनारी अर्थात् जिचो कोण शत्रु नासता, जी सृजनाचे साकार रुप विद्रस करपाच्या विरूध.

बायल हें उतर संस्कृत ''भार्या' उतरावेल्यान जल्माक आयलां, जें बायल वा पतीण अशा अर्थान वापरांत आसा. 'भार्या' हें उतर 'भार्या' ह्या संस्कृत धातुवेल्यान घडलें, जाचो अर्थ

चाकर, परावलंबी वा परसुवादीन असो मेळटा. 'भार्या' ह्या उतराकय घोवाची दासी घोवाचेर आदारून आशिल्ली असो अर्थ जुळिल्लो आसा. जो 'भार्य' आनी 'भार्या' दोगांयचोच संबंद सुचीत करता. नामनेचे इतिहासकार वि. का. राजवाडे हे आपल्या 'भारतीय विवाह संस्थेचा इतिहास' ह्या पुस्तकांत भार्या ह्या उतराचो अर्थ हार्या- one abducted- पळून नेलेली असो दितात. 'भार्या' हें उतर घोळटिकेंत उरून ताचो अपभ्रंश जावन मुखार भाय जालें. ताचें उपरांत बाय जालें शेवटाक बाय उतराक 'ल' प्रत्यय जुळून बायल उतर जल्माक आयलें'7.

बायलेचे रूप-स्वरूप तिची भुमिका खूब आसा. देवी, आवय, भयण, चली, मोगीका आदी.. प्राचीन काळापासून बायलेक खंयच्याना-खंयच्या रुपान पळोवप मेळटा. एके वटेन बायलेक देवीच्या रुपांन पूजता, जाल्यार दुसरें वटेन भोग वस्तु कशी तिचे कडेन पळोवप जाता.

"नारी त्रैलोक्यजननी, नारी त्रैलोक्यरूपिणि |

नारी त्रिभुवनधारा, नारी देहस्वरुपिणी ||"[8]

बायल मनीस आपल्या प्रतेक कर्तव्य पार पाडटा ते मागीर आवयच्या रुपान आपल्या भुरग्याक दुध पिवयता, भयण म्हणून आपल्या भावाक रखी बादून भावाची रक्षा करता, घोवाची अर्धगिनी जावन आपल्या घोवाचो सात दिवन आपलो संवसार सामाळटा. आनी एक धूव म्हणून आपल्या बापायचें नांव वयर काडटा.

पूण कितलें म्हटलें जाल्यार आयज लेगीत बायलाक आपले स्वताचे स्वतंत्र ना हे तितलेच खरे. एक अस्तुरी म्हणून समाज तिका दुर्भल ह्याच दुष्टिकोणातल्यान पळोवप जाता. जल्माक जेन्ना चली भुरगें येता. तेन्ना ताच्या नांवा फाटल्यान बापायचें नांव आनी लग्ना उपरांत तांच्या घोवाचे नांव आसता. पयली जबाबदारी बापायचेर आनी उपरांत घोवाचेर.

कांय बायल्याक सोडल्यार चडश्या बायलांक आपले स्वंताचे अस्तिव स्पशट करपाक खूब त्रास, कश्ट सोचे पडटा.

## 2.2 समाजांत बायलेचें स्थान

बायलांक समाजांत दुसरी सुवात दिल्ली आसाता. हाचे कारण म्हटल्यार पुरुश प्रधान संस्कृतायेत, दादल्याक संदाच वयलो मान दिल्लो आसता. समाजात बायल आनी दादलो हांच्या भितर सदांच फरक करप जाता. पुरुष प्रधान विचाराक लागून चडशीं बायला आपल्या भविषाची सपणां, आपलो कैरियर, लग्न वा लग्ना उपरांत लेगीत आपले निर्णय, आनी आपल्या भुरग्यांचे निर्णय लेगीत घेवपाक हक्क नासता. द सेकंड सेक्स पुस्तकांत म्हत्वाचो सिध्दांत म्हणजे " पुरुष स्त्रीचे शोषण करतो, कारण तो स्वत ला आघ्य तत्व तर स्त्रीला परतत्तव, दुय्यम-त्तव समजतो"[9].

समाजान बायलेक धर्म, रुढी, परपरां ह्या चौकटी भितर बांदून दवरिला, तिकां आपल्या हक्का पासून वंचीत दवरला. सामाजीक, अर्थीक, धर्मीक, शिक्षणीक, वेवसायीक आनी अशें तरेची जायती बदांना बायलेचेंर लादल्यात, जाका लागून तिका जिणेंत मुखार वचपाची आनी आपलें व्यक्तिम्हत्व योग्य रितीन विकसीत करपाची संद मेळना. आनी ह्या सगळ्या कारणाक लागून ती समाजाच्या सोशणाक बळी पडला. समाज हो बायलेक घडयता. जसो समाज तशी त्या समाजांतली बायल आसता. ही परिस्थिती जावन आसा. लग्न जावप आपलो संवसार साबाळ हो नियम समाजांत आदी पासून चालूच आसा. लग्न हे समाजान बायलेक ठरून दिल्ले कार्य कशें. 'जगातील बहुसंख्य स्त्रिया विवाहित असतात, विवाह करू इच्छित असतात, किंवा विवाह झाला नाही, म्हणून कुढत आसतात'[10]. लग्न जायना ते बायलेक सदांच स्पष्टीकरण समाजाक दिवचे पडटा.

भारतीय संस्कृतीत बायलांक 'यत्र नार्यस्तु पुज्यन्ते, रमन्ते तत्र देवता'[11] असो एक शोल्क आसा. हांचो अर्थ ज्या समाजात बायलांची पुजा जाता थंय देवाचो वास आसता. पूण समाजात हे चड पळोवपाक मेळना. बायलांक फक्त आपलो फायदो करून घेवपाच्या दुश्टिकोणातल्यांन समाज तिका पळयता. समाजान बायलेचेर नियम घातला. एक बायल कशी आसूंक जाय , तिची वागणूक, तिची उलोवपाची तरा, तिचे रहन-सहन, हें सगळें समाज तिका सांगता. सिमोन द बोव्हुआर –'बायल ही जल्मापासून बायल आसना तिका समाज घडयता'. जर बायल समाजान घालून दिल्या चौकटी भितर वावुरता जाल्यार ती गुणी, संस्कारी, आदन्याकारी बायल म्हणून पळोवप जाता. पूण त्याच जाग्यार बायलेन समाजाच्या नियमा भायर आपले विचार मांडले जाल्यार तिका वायट, नश्ट विचाराची, म्हणून हिणसावप जाता. बायलेक आपल्यांक अशी स्वताचीं सवतंत्र जीण जगपाक समाज दिना. बायलेन दादल्याक फाटीं उडोवन आपूण फुडें गेली समाजाक पटना. बायल दाव्या पांयांची व्हाण अशीं समाजाची मानसिक्ता आसा. तरी आयच्या काळात समाजाच्या विचारांक आनी नियमाक फाट करून आपले स्वताचे व्यक्तिम्हत्व घडोवक बायलां फुडें सरिल्ली पळोवपाक दिसली तरी आजून पुरुश प्रधान समाज वेवस्था सामकी सोंपली ना..

## 2.3 कुटुंबांत बायलेचें स्थान

सामाजीक मानसिकते वांगडाच कुटुंबीक मानसिकता बायलांक फाटी वोडटा. 'छाया दातार- सुरक्षिततेंच कोंदण म्हणता म्हणटा कुटुंब ही स्त्रियांच्या स्वातंत्र्याची 'कबर' च बनली'[12]. हाचे कारण म्हटल्यार चली आनी चल्याचो फरक हो कुटुंबात पयली जालो पळोवपा मेळटा. चल्याक 'घरांचे दिवो' आनी चलेक 'लोकांचे परखे धन' मानप जाता. घरांत चलो चली आसा जाल्यार तांका वाडोवपाची पद्दत लेगीत वेगळी पळोवंक मेळटा देखीक चल्या कडल्यान स्वतंत्र बुध्दीची, निर्भयपणाची अपेकशा दवरप जाता, कारण चले हे चलीपेकशा श्रेष्ठ वा सक्षम अशें मानप जाता.आनी चली ही अबला तिकां संबाळप असो समज पयली घरांतलीच करून दिता.

'कुटुंब संस्थां म्हणजे स्त्रीच्या शरीरावरील पुरूषाच्या मालकी हक्कला मान्यता ठरली'[13]. लग्न जाल्या उपरांत कुटुंबाची जबाबदारी बायलांचेर आसता. 'चूल आनी मुल' ह्या संकल्पने खाला ती उरता. पुरूश हो घरचो प्रमुख. कामाच्या निमतान तो घरां भायर पडटा. ''व्यवसायाच्या निमित्ताने चार लोकांत मिसळतो. उत्कर्षाच्या, वैविध्याच्या नवनव्या वाटा त्यापुढे खुल्या होत राहतात. स्त्री मात्र गृहिणी झाल्यामुळे पूर्ण वेळ घरात अडकते''[14]. कुटुंबाचो मान राखप, चाली-रिती पाळप, घराण्याचो वंश वाडोवप अश्या तरेच्या कर्तव्यानी बायलेक कुटुंबात बादलेल्ली आसा. घरांतले सगळें काम बायलांचेर सोंपयले आसता. आनी तिचो वेक्तित्व विकास जायना. आनी तिका पतिवर्थाच्या नियमा खाला रावचे पडटा. आपली इत्सा, आवड आकाशाक फाटी दवरून ती वावुरता, भुरग्यांक कुटुंबाच्या लोकांक ती सांबाळटा. पूण घरच्यां लोकांक तिकां किमत लेगीत दिवपाक जमना. कुटुंबाचो कोणो कसो बायल आसता. कुटुंबाच्या रक्षणा खातीर ती झगडटा, कुटुंबाक जोडून दवरता, रक्षण करता. कुटुंबाचो पाय, कणो इतलेच न्हय तर दर एक कुटुंबाचो जीव बायले मदीं आसता. चार भिंती बादून, घरांन पयशें हाडून दिले म्हूण घर

जायना, पूण जेन्ना एक बायल मनीस आपलो स्वताचो जीव मारून त्या घरांत वावुरता काम करता तेन्ना त्या घरांक घरपण येता. पुरुशाक हें सगळें कार्य, काम करपाक जमचे ना.

बायल ही जन्मदायिनी आसा. निसर्गान लेगीत नव्या पिळगची जडण-घडण करपाची जबाबदारी बायलाचेर सोपयला. तिका घडये अबला नारी म्हणटात पूण ती स्पपूर्ण गूणी, कसल्या संकश्टाक तोड दिवपाची सशक्त तिचे कडेन आसता.

पुराणान लेगीत जेन्ना -जेन्ना देवाचेर संकश्ट आयलां. तेन्ना लेगीत देवानी देवीक सांगणे केलां. बायलां बगर कुटुंबा पुराय जायना आनी कुटुंब बगर समाज पुराय जायना म्हणून बायल फकत कुटुंबाचीच न्ही तर समाजाच्या फाटिचो कोणो आसता.

आयज घडये काळ बदल्ला बायलांक घरां भायर वचपाक सवलत आसा. पूण तरी तांचेर कुटुंबाची जबाबदारी आसात. बायल कामाची कितली पुरो जावन घरां आयली तरी तिच्या कडल्यान कुटुंबाची अपेकक्षा आसता, तिणे घरचें काम करचें, आनी कुटुंब सामाळचो. तिच्या कडल्यान कसलीय चूक जाली जाल्यार तिच्या कामाचेर दोश दिवप जाता. आयज बायलांक राजकी पद मेळ्ळा, राज्यांत तशेंच पंचायतीन वाटो घेवंक मेळटा. पूण खरें पळोवपाक गेल्यार बायल वांगडी जाता पूण सगळें निर्णय तिचो घोव घेता, बायल एक सादन कशें आसता. कुटुंब वेवस्थेक लागून बायलाक दडपणेखाला, रावचे पडटा.

## 2.5 लोकगितांत बायलेचें स्थान

समाजांत घडिल्ले विशय घडणूको, प्रसंग आनी आधुनीक बदल, तशेंच मनशांचेर घडिल्ले बरें वायट प्रसंग, तांच्या आयुशातल्ले सूखा-दूखाचे खीण आदी.. हे सगळें लोकगितांनी आसपाविल्ले पळोवपाक मेळटा. लोकगीतांनी बायल कशीं चित्रायल बायलमनशेंची

रूपां, तिची नाती, तिचे उमाळे सूख-दूखाचे क्षण हे सगळें लोकसंस्कृतायेच्या गितां, काणयो, म्हणी, उमाणी, विधी, चालीं- रिती आनी परंपरांनी पळोवपाक मेळटात. पयलींच्या वेळार बायलेक व्यक्त जावपाक खंयच वाव नाशिल्लो.घरांत, समाजांत, कुटुंबांत वा संस्कृतीक सुवातानी बायलांक दुसरीच सुवात दिल्ली आसता. देखून ती आपली सगळीं दुखां खेळाच्या मांडार वा फुगड्याच्या आदांरान व्यक्त करता.

बायलमनीस आपल्या तीन मुखेल योनीत आमचे मुखार उबी जाता. हांतली पयली आसा 'दैवी दुसरी अतिमानवी आनी तिसरी मानवी. पयले दैवी योनींत ती फक्त माता आशिल्ली, दुसरे योनींत माते वांगडा तिका नारी ही भुमिका मेळिल्ली. तिसरे योनींत माता आनी नारी वांगडा ती सुनय जाल्ली. तिची ही नवी भुमिका अतिशय हाल-उपाद्र्यांची आशिल्ली. पयले योनींत ती स्वयंसिध्द आशिल्ली. दुसरे योनींत ती स्वनिर्णयीत आशिल्ली, मात सुनेचे हे नवे भुमिकेंत तिका दुसऱ्यांचे कलेन जगचें पडलें, दुसऱ्याची मर्जी संपादन करून रावचें पडलें. तिचो शक्तीपात जालो'[15].

कुटुंबांत वावुरतना बायल मनशेची वेग-वेगळी रुपां, तीची नाती, तिच्यो जबाबदाऱ्यो पळोवपाक मेळटा. ह्या सगळया रुपांचो उल्लेख लोकगीतांनी आयलो दिसता.

कन्या ही दान करपाची वस्त ती परक्याच्या घरां वचपाची ह्या संकल्पने खाला एक चलयेक ल्हानपणांसाखून वाडायलें आसता, तशीं परपरांच आसा. चली भुरगें वयार आयलें तशें तांच्या लग्नाच्या विशयाची सुरवात जाता. ल्हानांचे व्हड केले चल्येक जेन्ना आवय-बापूय कन्यादान करता त्या वेळार तांचेर दरपण आयले आसता. चलेक लग्न जावन दुसऱ्यां घरां वचपाची प्रता आदी काळा पासून चलत आयिल्ली आसा.

"आई-बाप्पाचे गे पोटी

जल्मली गे पुतळी,

कन्यादाना कोनळी

गे धुवेन वडयली"[16].

लग्न केल्या उपरांत ती त्या घरांची सून जाता. खूबशीं नवीं नाती निरमाण जाता. सून हे रुप लोकगीतांनी दिसता तेन्ना ते खूब कश्टी, त्रास आशिल्ले पळोवपाक घावतां. लग्न जावन आपल्या घर संवसारांत ती वेसत उरतां आपल्या कुळारां तिकां वचपाक घावना. देखीक लोकगितांच्या माध्यमातल्यान दिसता.चलेक आपले घर सोडून आपलो संवसार साबाळटा आसता. तेन्ना तिका आपल्या आवय-बापायची याद येनासतना एक दिस वचना. कारण कुळार आसतना ते बिदास आसता. पूण संवसाराचे वजे तांचेर पडटा. तेन्ना ते सरयभर जाता. ताका आपल्या घरचाची याद येता.

"बारीक शेला वाऱ्याने गेला

शेला भिजला दुखाने

पयलीं आशिल्ली आईच्या कुशी

आता देवा झाली मी लोकांची"[17].

बायल म्हणून ती घोवा कडेन प्रामाणीक, घोवाक आदर करपी, तांचे आयकोवपी, तांच्या कडल्यान किते चुकले जाल्यार सामाळून घेवपी, घोवाच्या सांगण्या खाला रावपी बायल धालाच्या गितांनी पळोवपाक गावता. देखीक

'बाज्जेर बाज, फुलांची शेज,

बाज्जेर कोण पहुडला गे, बाज्जेर कोण पहुडला

बाज्जेर पहुडला--- राजा ( घोवाचें नांव )'[18]

बायल आपली मालकी हक्क अशीं दादल्यांची वागणूक आसता. आपले बायलेन आसकचे आपल्या उतरां भायर बायलेन वयचे न्हय असो समज पुरशाचो आसता. आनी बायलेन आयकलें ना जाल्यार तिचेर हात उटोवपाक लेगीत फाटी रावना आनी हे फुगड्यांच्या गीतांनी दिसता.

'पलंगार न्हिदलेल्या रे म्हाज्या स्वामी भरतारा

म्हाजा बंधु आला मघरी, मी जातो मायेरा.

जा जा गे एका दिसा

येवूंनी देडा दिसा.

एका दिसा कशीं वचूं

देडा दिसा कशीं येवूं

काडीन गे चाबूक, फोडीन गे फाट

विसरायन गे मायेरची वाट'[19].

बायलमनशेक सगळ्यां रुढी-पंरपरांनी बादून दवरलां. घरांतले प्रतेक कार्य चाली-रिती प्रमाणांत जावपाक जाय असो नियम आसा. आनी ही जबाबदारी बायलांचेर आसता. ह्यो चाली-रिती पाळटा तेन्ना तिचेर नियम घालून दिल्ले आसता.आनी हे सगळें चाली-रितीनी, पंरपरांनी, लोकसंस्कृतायेन बायलेचे स्थान खंय आसा ते भेस तरेन दिसता.

**संदर्भ**


1) https://nojoto.com/post/780fbde94677ccaa03bfd530802a4502/.

2) https://www.stagging.storymirror.com.

3) वयलोच, संदर्भ.

4) नायक, जंयती. कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा एक समाजीक- संस्कृतीक अभ्यास : गोंय विद्यापीठ. 2000.

5)https://www.quora.com/how-did-English-women-come-to-be-so-different-from-equivalent-words-in-the-other=Germanic-languages-is-woman-etymological-related-to-any-other-languages-s-word-foe-women.

6) नायक, जंयती. कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा एक समाजीक- संस्कृतीक अभ्यास : गोंय विद्यापीठ.2000

7) वयलोच संदर्भ

8) यादव, राजनाथ. नारी अस्तित्व एवं अस्मिता तब और अब .डॉ अनुभूति, *नारी समस्याओं का समाजशास्त्रीय* अध्ययन, बिजनौर:हिंदी साहित्य निकेतन, 2013. पा. 23

9) गोखले, करूणा. सिमोन द बोव्हुआर द सेंकंड सेक्स, पुणे : पद्दगंधा प्रकाशन, 2010.पा.

10) वयलोच संदर्भ, पा. 311.

11) डॉ अनुभूति, *नारी समस्याओं का समाजशास्त्रीय* अध्ययन, बिजनौर: हिंदी साहित्य निकेतन, 2013. पा. 7

12) हर्डीकर, आनंद. स्त्री विरूध पुरूश. पुणे: राजहंस प्रकाशन, 2007,पा. 19

13) वयलोच संदर्भ,पा. 102.

14) गोखले, करूणा. सिमोन द बोव्हुआर द सेंकंड सेक्स, पुणे : पद्दगंधा प्रकाशन, 2010.पा. 373.

15) नायक, जंयती. कोंकणी लोकसंसकृतायेंत चित्रीत जाल्ली बायलमनीस. लोकरंग. मंडगांव : कोंकणी भाशा मंडळ, 2014,पा. 19

16) नायक, जंयती. करणे खुंटी नारी. मंडगांव-गोंय : तन्वी प्रकाशन, 1992, पा.102

17) वयलोच संदर्भ, 75

18) नायक, जंयती. कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा एक समाजीक- संस्कृतीक अभ्यास : गोंय विद्यापीठ. पा. 238.

19) नायक, जंयती. करणे खुंटी नारी. मंडगांव-गोंय : तन्वी प्रकाशन, 1992, पा 66.

20) भवाळकार, तारा. लोकपरंपरा आणि स्त्रीप्रतिभा. मुंबई : प्रकाशक विक्ष्वासराव, 2008

21) धागमवार, डॉ वसुधा. *भारतीय स्त्रीजीवन*, खटावाडी-मुबंय: मौज प्रकाशन, 1983.

22) मंदाकिनी, डॉ गीतावली. *स्त्रीप्रश्न सोडवताना*, पुणे : दिलीपराज प्रकाशन, 2009.

23) नाईक, शोभा. *भारतीय संदर्भातून स्त्रीवाद*, प्रभावदेवी मुबंई : लोकवागमयगृह, 2007.

24) डॉ विजयलक्षमी शर्मा, डॉ सुकृती मिश्रा. *नारी चिन्तन के विविध आयाम*,वारणसी: भारतीय प्रकाशन, 2015.

25) नायक, जंयती. लोकरंग. आमोणे-गोंय : राजाई प्रकाशन,2008

# तिसरें प्रकरण

## जयमाला दणायत – व्यक्तीमहत्व आनी कार्य

3.1 दणायत हांची जीण आनी वळख

3.2 दणायत हांच्या कथा साहित्याची वळख

3.3 दणायत हांच्या हेर साहित्य प्रकाराची वळख

3.4 दणायत हांकां लाबिल्ले मान- पुरस्कार

3.5 पुस्तकांची वळेरी

# प्रकरण 3 जयमाला दणायत – व्यक्तीमहत्व आनी कार्य

## 3.1 दणायत हांची जीण आनी वळख

जयमाला दणायत ही कोंकणीतली एक जेश्ट कथा लेखिका. फाटल्या साबार वर्सां साखून ती नेमान आनी सातत्यान लेखन करताली. जयमाला नारायण दणायत हांचो जल्म 17 डिसेंबर 1947 जालो. ती मूळ गोंयच्या जांबावली गांवांतली. तिच्या लग्ना पयलीचें नांव जयमाला दामोदर प्रभू चोडणेकार. तिचे सुरवातीचें शिक्षण जांबावले जालें, उपरांत तिणें बी एची पदवी पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयान घेतली आनी फुडलीं एम्.एची पदवी तिणें पुणे युनव्हर्सिटीत प्राप्त केली. एन्टायर हिंदी विशय घेवन तिणें एम्.एचे शिकक्षण पुराय केले.

तांचो स्वभाव सादो आनी मायेस्त. तिका ल्हानपणां साखून बरोवपाची आवड आशिल्ली. साहित्याचे वेग-वेगळे प्रकार तिणें हाताळा. कोंकणीच्या दालनान आपल्या लिखणेतल्यान भर घातला आनी नामना जोडला. शाळेंत कॉलेजीत आसतना ती सर्तिंनी वाटो घेताली, तशेंच स्टेजीर आपली कला सादर करून नांमना जोडील्ली. साहित्य अकादेमीन कोंकणीक भाशा म्हणून मान्यताय दिली. गोंयकारांनी आंदोलना करून कोंकणी गोंयची राजभास केली. गोंयांत कोंकणी शाळा सुरू जाल्यो. आनी त्या नदरेन नवीं पुस्तकांची भर जावची असो तिचो हावेस आसलो. जयमाला बॅकेंत कामांक आशिल्ली. तिचो घरकार लेगीत बॅक ऑफ इंडियाचे नेरूल शाखेंत कामाक आशिल्लो. पूण भुरगीं जातकत तिणें नोकरी सोडली. मागीर घरकाराची बदली जावन ती मुंबय गेली. लग्ना उपरांत लेगीत तिणें आपलें लेखन सोडले ना. मुंबय सारखिल्या शेहरांत रावन लेगीत आपल्या आवय भाशे कडली नाळ तोडीलीना. आपल्या गांवचे, गोंयचे तशेंच मुंबयच्या वातावरणांचे थंय आयिल्ल्या अणभवाचे लेखिकेन आपल्या लेखनातल्यान मांडळा. ती कोंकणीत तशेंच मराठी भाशेंत

बरयताली. वेग-वेगळ्या कोंकणी आनी मराठी भाशेंतल्या नेमाळ्यां खातीर आनी दिवाळी अंकां खातीर लेखन करताली.

गोयांत आसतना गोय रेडिओचेर तिणे बरोवन भुरग्यांल्या आगणांत, बायलां खातीर आशिल्ल्या कार्यावळिंनी तशेंच शिक्षणीक वितरावणेंत ल्हान-सान कार्यावळी सादर करताली. मुंबय आकाशवाणीचेर थोडो तेप कोंकणीतल्यान खबरो सांगताली आनी जायतीं वर्सां कोंकणी वृत्तनिवेदक म्हूण वावर करताली, तशेंच मुंबय दुरदर्शनाच्या कोंकणी कौस्तुभ कार्यावळींत वाटो घेतिलो. महाराष्ट्र, रंगभुमी प्रयोग परिनिरिक्षण मंडळाचेर कोंकणी नाटक आनी तियात्रां खातीर मानसेवी वाचक म्हणून नियुक्ती आशिल्ली.

तिच्या साहित्याचो आस्पाव गोंय राज्याच्या कोंकणी पाठ्यपुस्कांनी जालो. तिच्या एक एकांकिकेचो धावेच्या आनी एक कथेचो इकरावेच्या पाठ्यपुस्तकांत आसपाव जाला. तिच्या कथांचो इंग्लीश आनी हिंदी भाशेंत अणकार जाल्यात तशेंच प्रतिनिधीक संग्रहांनी आस्पाविल्ल्यो मेळटा. 15 जानेवारी 2023 वर्सा बंगळूरांत तिका मरण आयलें.

## 3.2 दणायत हांच्या कथा साहित्याची वळख

जयमाला दणायत हांचे चार कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात. कवासो, सांज-सावळी, झोंपाळो आनी मरण काळ. कवासो हो तांचो सगळयांत पयलो कथा संग्रह. लेखिका सातत्यान कथा बरयताली. तिकां बरोवपाची आवड आशिल्ल्यान आपलें लेखन चालूच दवरिल्ले. तिच्यो चडश्यो कथा दिसाळ्यानी, नेमाळ्यानी छापून प्रकाशीत जाताल्यो. तांच्या कथांनी गंभीर विशय जाणवता जाल्यार समाजात चलिल्ल्या घडणूकांचेर ती बडी मारता.तांच्यो कथा वास्तवीक आसा. लेखिक आयले अणभव, आशी कुशीचे वातावरण,प्रसंग घडणूको, घटना मांडला. भुरग्याच्या मानसिकसिस्थीक दरून कांय कथा

आसा. तशेंच कुटुंबीक विशय चड प्रमाणांत आयले पळोवपाक मेळटा. बायलांचेर आधारिल्ल्यो, तांचे भावविश्व व्यक्त करपी चडश्यो कथा आसा. कुटुंबीक जीण सावरतना बायलेक कसल्या संकश्टाक तोंड दिवचें पडटा तें तिणें आपल्या कथांनी मांडला. बायलेचे उमाळे तिची वेता व्यक्त केल्या. एक बायल मनीस म्हणून तिणें दुसरें बायलेचे उमाळे योग्य तरेन मांडलां. ह्यो कथा अस्तुरेच्या खाजगी तशेंच भौशीक जिणेचेर भाश्य करतात. समाजाक लागून तशेंच कुटुंबाक लागून बायलांक जिणेंत जो त्रास, समस्या निर्माण जाता आनी तांतूतल्यान ती कशी वाट काडटा तें ह्या कथांनी चित्रायलां. कांय बायलो अन्यायाचें सोशणाक आवाज काडिना जाल्यार कांय मुक्तपणांत कोणाचोच विचार करिनासतना आपली मतां मांडटा.

## 3.3 दणायत हांच्या हेर साहित्य प्रकाराची वळख

### 3.1 बालसाहित्य

जयमालाची पांच बालसाहित्यांची पुस्तकां आसा. तशेंच एक अणकारित स्वरुपांचे पुस्तक आसा. इंद्रधोणु, म्हातारी बुध्द, सत्पक ही बाल साहित्याची पुस्तका. प्रतेक पुस्तकांत पांच-स ल्हान स्वरुपाच्यो काणयो आसा. भुरग्यांच्या मनांचो ठाव घेवन, ताच्या मनांतले, भुरग्यांची मानसिकता समजोन रचला. पांच ते आठ वर्साच्या वय गटाक सोंबता अश्यो काणयो पुस्तकांनी आस्पाविल्यो आसा. भुरग्यांक बरें संस्कार दिवपाचो यत्न जाल्लो दिसता. शिटूकसाणेन कसले कामकरपाचो उद्देश दिवपी, तशेंच जाण्ट्या लोकांक आधार करप, तांकां मान दिवप ह्या तरेची शिकवण दिवपी काण्यो आसा. भुरग्यांनी कशें रावचें, वागचें ह्या सगळ्या गूणाचो बारिकसाणेन जयमाला दणायतान अभ्यास केलां. भुरग्यांक जी भास समजता आसता तशीं सादी सरळ सोपतां अशें भाशेंचो उपयोग केला. तशेंच

काण्यांनी तरां-तरांचे काल्पनीक घडामोडी वापरून बालसाहित्याक आकर्शीक पद्दतीन फुलोवपाचो यत्न केला.

## 3.2 निबंद

करबट आनी आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं हे तांचे दोन निबंद संग्रह. करबट हो तांचो पयलोच ललीत- निबंद संग्रह. हांतून पंदरा लेख आसात. लेखिकेन आपले अणभव, एक एक प्रसंग मांडला. विनोदी प्रकारात मोडपी निबंद आसा, तांतून आत्मचरित्रात्मक साहित्य लेगीत आसा, व्यक्तिचे चित्रण सुंदर रितीन चित्रायलां. तांच्या आयुशातलें सूख-दूख मांडलां. आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं निबंदान प्रयावर्ण राखपाचे, तशेंच झाडां-पेडांचे म्हत्व आयला. आचार्य देवो भव मदली तांची बाई ही सरिल्ल्या काळाचें प्रतिनिधित्व करता. एक बाई भुरग्यांचे भविश्व कशें बदलूंक शकता हांची बरी देख ह्या निबंदांत आसा. प्रवासवर्णन आयलां. आधुनिकतायेकडेन वयता आसतना आदल्यो गडाली चड याद येता. हांची देख घट्टपत्रां लेखात आसा. तशेंच तांच्या निबंदानी वातावरण निर्मणी बरीं जाल्या. बरोवपाची शैली लेगीत सुट-सुटीत आसा. आपल्याक जे सांगपाचे आसा तेच तिणे मांडला. जयमालान आपले अणभवानी आनी विचारांनी ह्या निबंदाक सोब हाडला ताकाच लागून तिचें साहित्य वांचकांच्या मनांत तग धरून रावता.

## 3.4 दणायत हांकां लाबिल्ले मान- पुरस्कार

'करबट' ह्या पुस्तकाक कला अकादमीचो साहित्य पुरस्कार फावो जाला.

कोंकणी भाशा मंडळाचो पुरस्कार फाव जाला.

'दाटगुळो ग्रंथ' ह्या पुस्तकाक साहित्य अकादेमीचो अणकार पुरस्कार फाव जाला.

## 3.5 पुस्तकांची वळेरी

कवासो (कथासंग्रह)1978, सत्पक (बाल एकांकी संग्रह)1982, करबट (निंबद) 1994, इंद्रधोणु( बालसाहित्य)1996, म्हातारी बुध्द (बालसाहित्य)1996, फुकटांत भोंवडी (बालसाहित्य-अणकार)1994, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं (निंबद संग्रह) 2006, रागदरबारी (अणकारीत -कांदबरी) 2010, सांज-सांवळी (कथासंग्रह) 2014, झोंपाळो (कथासंग्रह)2016, मरण काळ (कथासंग्रह)2020

## संदर्भ


1. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.
2. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014
3. दणायत, जयमाला. झोंपाळो, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016
4. दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020.
5. दणायत, जयमाला.*करबट*. पणजी-गोंय: राजहंस वितरण, 1994.
6. दणायत, जयमाला. *आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं*. पर्वरी-गोंय :कमिनी किणी,2006
7. दणायत, जयमाला. *सत्पक*. बाणावली-गोंय: हरी.गो. नायक, 1982.
8. दणायत, जयमाला. इंद्रधोणु. पणजी : राजहंस प्रकाशन, 1996.
9. दणायत, जयमाला. म्हातारी बुध्द. पणजी : राजहंस प्रकाशन, 1998.
10. बोरकार, दिलीप. जयमाला दणायत मायेस्त सभावाची गुणी लेखिका. बिम्ब-अंक फेब्रेर 2023 पा. 71.
11. थळी, मुकेश. जयमाला दणायत-आर्गां . जाग-अंक फेब्रुवारी 2023 पा. 19.
12. 12)https://m.facebook.com/AbhinavCreationzGoa/videos/%E0%A4%9C%E0%A5%87%E0%A4%B6%E0%A5%8D%.
13. https://www.danikgomantak.com.

# चवथें प्रकरण

## जयमाला दणायत हांच्यो कथा आनी कथेंचे साहित्यीक घटक

4.1 कथानकां

4.2 पात्र चित्रण

4.3 संवाद

4.4 वातावरण

4.5 संघर्श

4.6 भास शैली

4.7 निवेदन शैली

# प्रकरण 4 जयमाला दण्यात हांच्यो कथा आनी कथेंचे साहित्यीक घटक

## 4.1 कथानकां

कथानक हें कथेचे मूळ, कथेंत कथानकाचो बीज बरो आसलो जाल्यार कथेक सोब येता. कारण कथेंचेर नियंत्रण दवरपाचे काम कथानक करता. कथानकांचे तीन पावडे आसता. सुरवात, मध्य आनी शेवट. सुरवातेक कथेंचो विशय, मध्यांत ताचो विकास आनी शेवटाक वाचकांक कथा वाचतना तांका पडिल्ल्या प्रस्नाक जाप मेळटा. ह्या तीन पावड्याक धरून कथा उबी जाता. कथानक कशें तयार जाव शकता म्हणजे एकादे कथानक वास्तवता समाजातली वा एकादी घटना प्रसंग हे दाखो शकता वा कथानक रचता तेन्ना कल्पकताय घालून कथानक बरोवंक शकता. 'जायते फावट घडणूक आनी घडणुकांनी बांदिल्ली कथानका हें मुखेलपणान व्यक्तिदर्शनाखातीर जांव हेर तरांच्या मनशाच्या चित्रणां खातीर वापरिल्लें आसता अशेंय कांय कथांतल्यान दिसून येता'[1]. कथेंतले सामाजीक, मानसीक, प्रस्न आनी ताचो संघर्श सोडोवचे काम कथानकांच्या माध्यमातल्यान जाता. माथाळ्याचोय आसपाव कथानकात जाता.

जयमाला दणायत हांची कथा रचना वेगळी. तिका जाय तशीं मुक्तपणात कथेची रचना करता. तिच्या कथेचे विशय सामाजीक, कुटुंबीक मध्यमवर्गीय समांजात उप्रासपी प्रस्न. जिवितांतले तणाव, कुटुंबीक स्थरां वयले, मनशां भितरले तणाव मतभेद, बायलाचे प्रस्न तांच्यो वेदना, मानसिकता लेखिकेन योग्य तरेन कथानी मांडला.

जयमाला दणायत हांच्या कथांनी वर्ग-संघर्श, जाती भेद, अंतरजाती लग्न ह्या सगळ्या सामाजीक बंधनाक लागून जाल्ले त्रास तिणे आपल्या कथेंच्या माध्यमातल्यांन मांडपाचो प्रयत्न केला. 'जाती-भेद' कथेंत उच्चवर्गीय बाम्हण समाजांतले नीरा कलवंताचो चेडो नरूचें नातें समाजात तशेंच सदानंदाक नीराच्या भावाक मान्य नासता. कारण समाजात

जाती वेवस्थेक चड म्हत्व दिल्ले आसा. पूण नीरा ह्या गजालीचो विचार करिना, नह्य वांगडा पळून वचून लग्न करता. आनी ह्या कारणाक लागून निराचे आनी संदानदाचे नाते चुटां. हे सगळें जावन लेगीत ह्या कथेंत भाव-भयणीचे नाते कितले घट आसा ते लेगीत दिसून येता.

'नोट चलयली' कथेत सुद्रें गांवड्या समाजाचे आनी ताच्या चल्याक जोर आयिल्लो आसता. म्हूण ते दोतोराक तपासपाक आपयता. पूण सुद्रें कडेन दोतोराक दिवपाक पयशें नासता. दोतोराक सुद्रांची तिडक मारता तांका तो केच फेस करता. तो म्हणटा 'चडच मात चडला हालीं ह्या गांवड्यांक बहुजन समाज न्हीं हो चेव चडला हांकां'. कथेंत उच्चवर्गीय आनी मध्यमवर्गीय समाजा मदीं कसो भेद-भाव जाता, हे दिसून येता.

'अंगोस्तर' कथेंत मोगाच्या आनी वासुबाच्या नात्याक समाज हिणसायता. आंगोस्तराक घेवन रावला म्हणून फकाणां करता. पूण वासुबाबक मोगाचे म्हत्व खबर आसता. वासुबाबाचेर संक्शट आयिल्ले आसता आनी तांका पयशांची गरज आसता. तो आपल्या बायले कडेन मागता पूण बायल तांका आपले भांगर वा पयशें दिवपाक ना म्हणटा. आनी दुसरे वटेन मोगा आपूण जावन स्वता वासुबाबक मदत करता. वासुबाबाक मोगाचे कवतुक दिसता. ज्या वेळार आपले स्वताचे बायलेन लेगीत सात दिलो ना, त्या वेळार मोगान तांची मदत केली. वासुबाबाक मोगाची तोखणाय दिसता.

समाजात वावुरपी लोक तांची मानसिक्ता, दुसऱ्याक नांडपी स्वभाव हांचे चित्रण 'नोट चलयली' कथेंत तीन दादल्याची पाड बुद्दी आपली खोटी नोट चलोवच्या नादान सुद्रेंयाक फसयता. नाड पणाचो स्वभाव आपली खोस भागोवपाक लोक दुसऱ्याचे पाड घालपाक फाटी रावाना. तेच तरेन 'नागावणो' कथेंत बापान गांवच्या लोकाक नागोन आपलो संवसार उबो कल्लो. आनी निमणे कडेन तांका मेल्या उपरांत तांचे चेडे तांका नागोन पयशें केल्ला म्हणटा हे आयकोन तांच्या आत्मायक पक्ष्यातापं जाता. ह्या कथेंच्या माध्यमातल्यांन

समाजात वावुरपी नाडें बुद्दीच्या लोकाचेर लेखिकेन बंडी मारला. आपलो फायदो करून घेवपाक दुसऱ्यांचो घात करपाक लोक फाटी रावना हे स्पश्ट तरेन दिसता.

'पाल' कथेंत मोनजातीची प्रतिकां वापरून कथा रचला. घरांतले प्रसंग दाखयला. तांतूतल्या एकां वाक्यातल्यान घरचे खरे सत्य दिसता. 'आडयावेली पाल चूकचूकत व्हडलेले रांदचेकुडींत पावली आनी वण्टीवेल्या पालीन धाकलेले रांदचे कुडीचो आधार घेतलो'[2]. एक कोडू सत्य लेखिका ह्या कथेच्या माध्यमातल्यान मांडटा. कोणाच्या फाटल्यान कोण मरना. घरची म्हातारी मरता. ते म्हातारेन सगळ्याक एकी कडेन बादून दवरिल्ले आसता. जेन्ना ती म्हातारी मरता तेन्ना त्या घरांचे घरपण वयता. उपरांत तिच्या भांगराची वाटणी, तशेंच घरांची वाटणी जाता.

बायल मनीस घर-काम ,भुरग्यांक सामाळटा आसतना कितले त्रास काडटा ताचें चित्रण तिचेर जावपी मानसीक त्रास, तांच्या मुखार निर्माण जाल्ले प्रस्न आनी हे प्रस्नाक ती कशीं तोंड दितात, हे सगळें बारीखसाणेन कथेंत आयलां. 'सांगशी पूण सांगू नज', 'जळटा ताकांच कळटा', 'गर्भवाळटी', 'कशी रे पडली भूल' ह्या कथेंचो आशय विशय लागी-लागी आशिल्लो जाणवता. कारण ह्या कथानी बायलांक घरची सतवणूक तांकां कोणूच समजोनव घेवपी वा तांकां आधार दिवपी दिसना. 'जळटा ताकाच कळटा' ह्या कथेंतल्या उषाक कामाक वचपाक मायचो विरोध आसता. उषाक ती खूब सतयता, ताका त्रास करताली गांव भर आपली सून वायट आपल्याक ती त्रास करता, घरा-दारांचेर लकश नासता, तशेंच उषाक आजून भुरगें जावंक ना म्हूण हिणसायताली. जेन्ना उषाक चेडो जाता त्या वेळार तांची मांय आपल्या नातवाक मेळपाक लेगीत येना तशेंच ताच्या बारशाक लेगीत वचना. नातू तिका दोळयां मुखार नाका आसलो. मीराबायची बुरशेपणां वाडूक लागिल्ली आनी ताचो त्रास उषाच्या चेड्याक पार्थाक जावपाक लागिल्लो आनी त्या कारणाक लागून मीराबायक वृद्धाश्रमान घातिल्ली. पूण उषाची शेजारी तांचो दोश करि

कारणान लोकांक कितें घरांन चलिल्ले ते कांय खबर नासलें. लोकांची तोणा उलोवपाक जाणा. ज्या मनशांचेर कितें प्रसंग आयल्लो आसता तो तांकाच खबर आसता. हे ह्या कथेंत जाणवता.

'गर्भवाळटी' कथेंतले सविता लोकांचे नदरेन सर्वसूखी कशें आसलें, घोव दोतोर तांचे दोन भुरगीं, मोटे घर आशिल्लें पूण ते भितल्या-भितर फुगांर जाताले. कारण माव आनी देरांची वायट नदर. मावाची वायट उतरां आनी देराचो मायावी हलकट स्पर्श तांका विट हाटालो. आपल्या मनांतले तें कोणाक सागूंक लेगीत शका नासलें. घोव लेगीत तांका शोकिस्तली बावली कशीं वावुरपाक लायतालो. तांणे कशें रावचे, कसलें कपडे घालचे हे सांगतालो, सविता एक प्रदर्शनाची वस्त हांचे भायर ताका मात लेगीत व्हालोर नासलो. सविता संवसाराच्या चेपणे खाला चेपी गेले ह्या गर्भवाळटेन तांचे मन पोखरित गेल्ले.

भुरग्यांचा मनाचेर जावपी तणाव तांची मानसिक पिडापिड 'बॉन्साय', 'बारावी', 'रुपडे' कथेतल्यान जाणवता. आवय-बापायक आपली सपनां पुराय करपाक भुरग्याचे मन समजोवन घेनासतना, तांचेर आपले विचार लादप जाता. भुरग्यांनी कितें शिकचे, कशें वावुरचें आनी कितें करचें न्ही हे आवय-बापुय जबरदसती करून भुरग्यांचेर घालता. आनी त्या भुरग्यांचेर उपरांत ताची जीव दिवपाची परिस्थिती येता. 'बारावी' कथेतलो सर्वेश आपलो जीव सोपोवचो प्रयत्न करता. तशेंच 'रुपडे' कथेंतले सपना आनी तांचो भाव आवय कडल्यान पयसावलो कारण ती आपल्या भुरग्याची तुळा दुसऱ्या भुरग्या कडेन करताली. आनी 'बॉनसाय' कथेंत आवयच्या सांगण्या खाला रावन तो आपले जिवीत कशें जगचे विसरून गेलो . आवयेन तांका मुक्तपणांत वाडोक दिल्लो ना आनी तांची थंयचा थंय बॉन्साय जाली.

साहित्यकार समाजाचो एक अविभाज्य घटक आसता. तशेंच जयमाला दणायत हांचानी आपले अणभव, विचार कथांनी मांडला 'हुवांर', तशेंच 'गांयडोळ' कथांनी लेखिन आपल्या ल्हानपणांचे अणभव मांडला.

जीणेचे तत्वन्यान मांडपी कथा 'जाली रे सांज' आनी 'सांज-सावळी' कथेंत दिसता. मनीस संवसारांत येता. हें म्हजे तें म्हजे करता. पूण वयतना कांय घेवन वचना. तशेंच संवसारांत आयिल्या दर एक मनशांक हो संवसार सोडून वचपाचो आसता. हें जिविताचें सत. कथांनी हें जीणेचे तत्वगिन्यान सहज, सादेंपणांत, पात्रांच्या जिणेच्या प्रसंगाच्या माध्यमांतल्यान आसला.

## 4.2 व्यक्तिरेखा

कथा बरी जावपाक जाय जाल्यार कथेंत पात्राची भुमिकां म्हत्वाची आसता. कथा रुपाक हाडपाक पात्राचो वाटो आसता. कथेंत पात्रांची दोन तरेन वळख घडयता एक तरां ताचे भायले रुप, न्हसण तांचो देखाव आदी.. आनी दुसरी तरां ताचो स्वभाव गूण तांची मानसिकता, तांची वृती. पात्रांचें चित्रण तांच्या हालचालींतल्यान उबें जावंक जाय. कारण कथेंचे खरें जैत प्रसंगा परस स्वभाव दर्शनाचेर चड आदारीत आसता. कथे भितर मर्यादा आसता. म्हणून पात्राचे पुराय जिवीताचे चित्रण करपाक मेळना फक्त कथेंत मर्यादीत आसा तितल्याच स्वरुपाचे चित्रण करपाक मेळटा. 'कथाकार एकाद्या व्यक्तिच्या कार्य, भावना, वृती, विचार, कल्पना, संवेदना, जिविताविशांची नदर, जिविताची रीत आदीं गुणांच्या चित्रणांतल्यान त्या व्यक्तिची एक उतरांच्या रुपान प्रतिमा कथेंत निर्माण करता. व्यक्तिच्या ह्या उतररुपी प्रतिमेक पात्र अशें म्हणटात'[3]. वाचकांच्या मनांत लेगीत कथा वाचल्या उपरांत पात्राचो स्वभाव तांचो संधर्श तकलेंत उरता.

जयमाला दणायतान आपल्या पात्रांच्या मनाचेर बरो उजवाड घातला. आनी तांतूतल्यान बंडखोर व्यक्तीचित्रणा घडयला. 'जल्मगांठी' कथेंतले पात्र 'निमा' समाजांत चल्लील्या हुंडो प्रतेचेर बंडखोरपणांत आवाज करता. आपल्या लग्ना लागून आवय-बापाक हुंडो दिवचो पडचो न्हय म्हूण ते आपले लग्न साकरपुडो जावन लेगीत मोडपांक फाटीं रावना. समाजांत अश्योच वेक्तिरेखा उब्यो जावच्यो अशीं देख निमाच्या स्वभावातल्यान दिसून येता.

'बदलतो काळ' कथेंतले 'रेशमा' सवतंत्र पणांत आपल्या पायाचेर उबे आसता. आनी आपल्या लग्ना वेळार ते आपल्या आवय बापयची जबाबदारी लग्न जानव लेगीत आपूण उबारतले, आनी गरज पडल्यार आपल्या घोवागेर हाडून दवरतले हें आपल्या मावाक सरळ लग्न थारयता त्या वेळार सांगता. नवो विचार मांडपी समाजान चल्लील्या रितीनचेर भाश्य करपी आनी बदलत्या काळात आपलें विचार मुक्तपणांत मांडपी व्यक्तिरेखा लेखिकेन चित्रायला .

'वाळवण' कथेंतले 'सुमित्राबाय' तांबडे आलवण न्हेशिल्ले बोडकी, काम आनी काम केन्नाच जिवाक सुसेग घेनासले. सदांच वावुरताले. घोव आसलो तो बी बेबदो, दोन भुरगी आशिल्ली आनी तिसरे पोटांत आसले. तेन्ना ताच्या घोवाक मरण आयलें, तरी लेगीत तिणे आपल्या आयुशात आयिल्या सकश्टांक फाट केल्ली ना. आपला भुरग्याक शिकोन लग्न केली. पूण तिच्या आयुशात आनी एक सकश्ट आयिल्ले तिच्या चेड्यांचो अपघात जालो. पूण तिणे त्या प्रसंगाक लेगीत भियानासतना फुडो केलो. आपल्या सूनेची जबाबदारी घेतल्लेली. सून राणांव जाल्या उपरांत लेगीत तिचो कसल्योच विधी करपाक तिणे गांवच्या लोकांचो विरोध केलो. आपल्या सूनेक फुडें शिकयले तिणे तशेंच ताका नोकरेक लायले आनी आता आपल्या सूनेचे परतून लग्न करतलें हो विचार तिच्या तकलेन

आशिल्लो. अश्या बदंडखोर वृतीची व्यक्तीरेखा, नवो विचार मांडपी सुमित्राबाय आमका दिसता.

'गर्भवाळी' कथेंतले 'सविता' सामकें कर्मट घराण्यांतलें चली, तिनसांजचें भायर भोवंक जायना, दिव्या वात घाली की शुभंकरोति म्हणप, रामायण, महाभारताचें वाचन असल्या वातावरणांत वाडिल्लें. आजेच्या संस्कारान ल्हानाचें व्हड जाले. आंगरभर न्हेसून भोवपी,मर्यादिन  चलपी, हळू हांसपी. स्त्रीमुक्तीचो गंध लेगीत नाशिल्लें सादे सविता. पूण लग्ना उपरांत तांचे आयुश बदल्ले. घरांत माव, देराच्यो वायट नदऱ्यो तांचेर आशिल्लो तशेंच घोव लेगीत ताका व्हालोर दिना आसलो. घोवाच्या सागणेन ते घोवाक जाय तशें वावुरताले, मनांसारखे आंगभर न्हेसपी सविताक घोवक जाय तशें आंगाप्रत्यंगाचे चड दर्शन जाय सारखें न्हेसण न्हेशें पडिल्ले. तांच्या मनांक पटानाशिल्ले तरि लेगीत तांचो मूळ स्वभाव बदलूक नाशिल्लो. ल्हानपणांत मनार जाल्या संस्कारांनी घोवाचे इत्सेक मान दिवप आनी घरांतल्या जाण्टया मनशांची मर्यादा सांबाळीत, पतिव्रत्याचें पालन करप हे तांचे ध्येय जावन आशिल्ले.

ह्याच तरेची मानसिसकता 'वीणाच्या' माध्यमांतल्यान *'बेनल्ल'* कथेंत दिसता.  वीणा ल्हानपणापासून फुडें शिकपाची इत्सा आसली. पूण घरच्या सांगणाक लागून शिकक्षण सोडले, घरातले काम, शिवणकाम, जेवणखाण कशें करचे हे शिकून घेतले. आनी लग्न जावन आपलो विचार करिनासतना, घरचाचो, घोवाचो आपल्या भुरग्याचो विचार करपाक लागले आपले स्वताचे अस्तित्व ते विसरू गेल्ले.  अशीं दुर्भळ, उगी रावून आपल्या नशिबात आयल्या सकश्टाक समोर वचपी व्यक्तिरेखा लेखिकेन रचलां.

पुरुश प्रधान संस्कृतीन दादले कशें बायलांचेर हक्क दाखयता,. खंयच्याय दादल्याक बायल वरचड जाल्ली केन्नाच नाका आसता. बायलेची नोकरी दुय्यम तिच्या जाग्याप्रमाणच कितलीय व्हडली आसली तरी गरज पडल्यार करप आनी मागीर घर, घरांतले रांदप,

भुरग्यांक सांबाळप हे बायलेचे काम मानपी दादले. अश्या तरेचे मालकी हक्क तिचेर गाजोवपी व्यक्तिरेखा लेखिकेन चित्रायला देखीक बेनल्ले कथेंतलो विनोद, 'गर्भवाळटी' कथेंतलो 'सुदीन', 'ओन्ली हावसवायफ' कथेंतो घोव. ह्याद दादल्या पात्रांचो स्वभाव गूण, तांचे विचार एकांच तरेचे आसा.

समाजात वावुरतना लोक आपल्या तोडार कितलिशींच रुपडी घालता. खावचे दात एक आनी दाखोवचे दात एक आसता. तेच सत्य 'रुपडें' कथेंतले पात्र 'सूलु' समाजांत वावुरतना आपूण सादें आपल्याचेर घरांत सगळीं घरांची कामा पडटा. अशें सांगपी सूलुचे लकक्ष मात आपल्या घरांत नासले फकत आपलीं मंडळां आनी मैत्रीणी, आपल्या भुरग्यांचे हेर भुरग्यां कडेन कंपेरिझन करप, आपल्याक जाय तेच भुरग्यांनी शिकचे खातीर फोर्स करप. घोवा कडेन झगडीं तशेंच आपलें तेच खरें करपी स्वभाव, ह्या तरेची मानस्किता दवरपी सुलूचे पात्र.

तशेंच फोटिंगपणांचे आनी लोकाक नाडपाची पात्र म्हटल्यार 'नागवणो' कथेंतलो बापा पन्नी ज्युदी, दुसकें खोमीस, जल्मांत शाबू लायनाशिल्लें म्हेळें पुडवें, पिंदकरें जोते आनी रंग गेली लग्नाकडली तोपी असो बापाचो भेस आशिल्लो. गांवच्या लोकांक विश्वासान घेवन तांका ताणे फटयली. गांवचो खोणूय वायट प्रसंगा वेळार तांचे केडेन आपली कागत पत्रा घेवन येत जाल्यार बापा तांका परतून करिनासलो. आनी ती जमीण तो आपल्यांक दवरतालो. लोकांक बरी जाप दिवपी, सकले मानेन आपलें काम करपी आनी गिरेस्त जावनय सादेपणांत रावपी अशें लोकांक दिसतालें पूण बापा दोन रुपडीं घालून लोकांक नागयतालो.

## 4.3 संवाद

संवाद हो कथेचो घटक आसलो तरीय ताका म्हत्वाचो घटक मानपाक जांवचेंना. संवादा बगर लेगीत कथा निर्माण जाव शकता तशेंच पुराय कथा संवादाच्याच रुपान आकार घेव शकता. लेखक आपल्याक जाय त्या प्रमाण कथा बरोवंक शकता. संवादा बगर कथा नांवा रुपांक येवूंक शकना अशें नासता. कथेंत कसली घडणूक, प्रसंग वा परिस्तिथी उबी करपाक जाय जाल्यार संवाद उपयोगी थारता. संवादाचो मुखेल हेतू हो पात्राचे व्यक्तिम्हत्व दाखोवपाक आनी कथेंत पात्रा निर्मीत करपाक. पात्राचे गूण दोश तांचो स्वभाव, तांचो समाज, संस्कृतीक दायज, तांची मानसिक्ता हे सगळें संवादाच्या माध्यमातल्यान पळोवपाक मेळटा.

जयमाला दणायत हांच्या चडश्या कथांनी संवाद हो येल्लो पळोवपाक मेळटा. कांय कथेंची सुरवातुच संवादाच्या माध्यमातल्यान जाला. तो संवाद मागीर पात्र आपल्या भितरूच करता वा हेर पात्रा भितर, शेजऱ्या-शेजऱ्या भितर आसता आदी..

'शिरशिरता पावस यादींचो' ह्या कथेंत नीता आपल्या मना भितर संवाद सादता ते म्हणटा

'याद आसा तुका आमी आपालिपा खेळटालीं

घोवाक सोदून काड म्हळयार तुका सोदून काडटालें

उगडास आसा तुका आमी चिंचेमुळांत लिपतालीं..'[4].

हे कथेंत नीता आपल्या भुतकाळांत घडिल्ली घडणूक सहज कथेंच्या माध्यमातल्यान वाचकाक सांगता हेर खंच्याच पात्रांचे संवाद हांगा जायना.

आंगोस्तर कथेंची सुरवात ''कितें जालां तुमचें आज सामकें चिंतेस्त शे दिसतात?'' मोगान विचारलें. ''सगळ्यो जाणवायो तुमकां रांडलांक जाय कित्याक?''[5] वासुबाबन आवाजांत विखार ओतीत म्हळें.

ह्या संवादाच्या माध्यमातल्यान दुसऱ्या व्यक्तीच्या मनांत कितें चल्ला तो कसले विचार करता हें जाणवता. वासुबाबाक कसलो तरी विचार मनांत घाता. आनी तांका लागून तो मोगाचेर आपलो राग वेकत करताना दिसता.

'खट' कथेंत ''आप अकेली क्यूं रहती हो इस अनजान गांव में? माँ-बाप के पास क्यों नहीं रहती? या फिर शादी ब्याह तो कर लेना चाहिये ना?''[6]

उतरप्रदेशेच्या गांवात रावपी त्या रिकशेकार संगीताक विचारता. ह्या कथेंत हिन्दी भाशेचो वापर केलो जाणवता. आनी तांच्या माध्यमातल्यान त्या वातावरणाक तशेंच प्रसंग परिस्तिथीक सोपता तसो संवादाचो वापर कथानी जालो पळोवपाक मेळटा.

''इल्लीशी सांगशी करून दिगा मामा,

वेल्या रानां सोसो आसा, कासे वतलीं

सोश्यालें मांस काडून मामा दितलीं

आनी मामालें चली हाडून सून करतलीं.''[7]

हे धालाचे गीत निमा आपल्याचेर आयिल्या परिस्थितीक लागता तशें पिशें जावन गांता. कारण निमाक आपल्या आत्याचो चलो उमेशा वांगडा लग्न करपाचे आसताता. ल्हानपणां साकून ते हेच सपन पळोवन ल्हानाचे व्हड जाले आसता. आनी उमेश तांच्या कडेन लग्न जायना म्हणटा. आनी तांचो परिणाम निमाच्या मनांचेर जाता. आनी निमा सहज आपले मन धालाच्या गितांतल्यान वेक्त जाता.

''पांचव्या पांचव्या चुड्या हातान

कामरील्ल्या जरी शालवान

व्हंकलेच्या हळदी आंगान

श्रावण सांज हांसता, श्रावण सांज हांसता...''[8]

गीतां लेगीत आमच्या जिणेत म्हत्वाची भुमिकां निभयता. नकळटा कितलेशेंच सांगून वयता. मनशांच्या मनातली घालमेल दिसता. तो व्यक्ती त्या वेळार कितें अणभवता हे जाणवता.

## 4.4 वातावरण

कथेचीं रचना बेश्टी घडनांत तशेंच कथेंतली पात्राची रचणूक लेगीत सहज जायना. हे सगळें योग्य रितीन घडपाक जाय जाल्यार कथेंत वातावरण म्हत्वाचे आसता. वातावरण कथेंत म्हत्वाची भुमिकां निरमाण करता. 'कथेंत एक कल्पीत परिसर निर्माण करप आसता तशेंच पात्रा प्रमाण कथेंतल्यो घडणूको, तांतुंतलें नाट्य, संघर्ष हांचोय कथेंतल्या वातावरणा कडेन संबद आसता'[9]. कथा एकांद्या काळाक दर्शयता जाल्यार त्या काळाचे वातावरण रचप आसता. कथेत काळ- थळ, भौगोलीकताय, एकांदो समाज ताची संस्कृती आशीं कुशींची परिस्थिती हे सगळे घटक कथेंत वातावरण निरमाण करपाक म्हत्वाचे थारता. कथेंत योवपी सैमाचे वर्णन, शाहरी जीणेचे प्रसंग, ग्रामीण वाठांर, गांवातलें सण आदी.. तशेंच आशीं-कुशींचे सगळें चित्रण कथेंत वातावरणाच्या माध्यमातल्यान चित्रीत जाता.

वातावरण निर्मित करपाचो गूण जयमालाच्या कथांनी बरे तरेन परगट जाला. सैमाचे वर्णन श्रावण म्हयन्यांत गांवचो सोबीत परिसर 'बिटयबिटें' कथेंत चित्रयाला – 'दारामुखार

दोशींवटेन रंगयाळी फुलिल्लीं शब्दुलीं- पोरसांतल्या माटवावेलीं हळदूवीं घोसाळेफुलां, कुशीनूच आपणाल्या मंद परमळान धाय दिको भरून हांसपी पारजतकाचें झाड, वत पावसाचो चलपी आपालिपा'[10].

'हुंवार' कथेंत पावस पडिल्यान सरभोवतणचें वातावर्णन कशें फुलून येता. 'सगळ्याक शितळसाण पाताळटा हे दुर्शय लेखिकेन आपल्या उतरांनी रंगयला. तो अरूंद रस्तो लेगीत पावसा उदकान न्हावन काळो तिकतिकीत जाल्लो. एका काळ्या कुळकुळीत सोरपावरी वांकडीं तिकडीं वळणां घेवन फुडें सरतासो भास जातालो. दोशीं वटेन कुचकुचीत पानांनी भरिल्ले भेंडयेचे रूख सोबून दिसताले. दनपार सावन पावस थांबिल्ल्यान सुर्याचीं किरणां चोंयीवशीं पाताळिल्लीं'[11].

'जल्मगांठी' कथेंत गोंयचे वर्णन तशेंच त्या गांवचो आशींकुशींचो सैम आनी गोंयचे नुस्ते. 'इल्ल्याशा दोंगुल्लेवयल्यान ह्या चिटकुल्या गांवाचें दर्शन, उणें पडल्यार पांचवींचार शेतां आनी धवींफुल मीठागरां तांतून भर घालतली. आनी गोंयचे फामाद शेंवटे आनी आगरांतल्यो वाघयो'[12].

घरच्या लग्न कार्याक कसो भोवाळ धावपळ आसता हांचे चित्रण '*फुलपांखे*' कथेंत माटवांत लग्नाचो हो बोवाळ चलतालो. 'स्टेजीर भटमाम, न्हवरो-व्हंकल आनी तांचे आवय-बापूय, भाव-भयण हांचो गोंदळ चलतालो. इतरेजन म्हणचे दोशीं वटेंतले सोयरे धायरे, इश्ट-मित्र सगळें हॉलांत हांगा खंय ग्रुप्स करून बशिल्ले'[13]. आनी 'जाली रे सांज आता' कथेंत लग्ना उपरांत रिसेप्शनाचो बोवाळ चालू आशिल्लो. 'हॉलांत धुंद करपी बँड वाजतालें बायलां-भुरग्यांचो एकच बोवाळ चलिल्लो. स्टेजीचेर मदीं सव्यार न्हवरो व्हंकल बशिल्लीं आनी दाव्या कुशीन तशाच एका सव्यार नानूबाब आनी वयनी बशिल्ली'[14]. ह्या कथांनी चित्रीत केले वर्णन आसा तशें दोळ्या मुखार उबे जाता. लग्नाचो जो बोवाळ जी धावपळ जाता ती सहज जाणवता.

'पावर कट' कथेंत निलीमाचेर जेन्ना तीग -चौग जाण मेळोन बलात्कार करता त्या वेळार जे दुर्शय लेखिकेन मांडला ते वाचून आंगार काटे आयलां बगर रावचे ना. मनांत वाचता आसतना भंय निर्माण जावप इतले बरे रितीन चित्रायला. 'बुटांची टॉक टॉक लागीं लागीं पावली तशें तें सादूर जालें. तीग चौग जाण तरी आसतलें. असंबद्द उलयताले- बडबडटाले. वाटेवयल्या बारांतल्यान सोरो पियेवन कोण तरी बेबदे वतातत जातले रस्तार-ताका दिसलें. मकळटां ताचीं पावलां बेगिबेगीन पडूंक लागलीं. अचकीत ते चौग गुंड कशें बेबदे ताचे भोंवतणी जमा जाले. एकल्यान पट् करून ताच्या तोंडार पट्टी चिकटायली'[15]...

अश्यो आनीक कितल्योशोच देखीकी हेर कथांनी पळोवपाक गांवतल्यो. तांच्या प्रतेक कथेंत वातावरण फुलून आयला आनी आपल्या लेखशैलीचो रंग वापरून वातावरण आसा तशें वाचकांक आपल्या कल्पनेत अणभवपाक लायता. जेणे करून वाचपी कथेंक आनी त्या वातावरणाक बांदून उरता.

## 4.5 संघर्श

कथेंत संघर्श लेगीत खूब म्हत्वाचो आसता. कथांनी संघर्श पळोवपाक मेळटाच. हो संघर्श दोन व्यक्ती मदीं, दोन मनां भितर, दोन पंगडां भितर वा एकदां- एकदां हो संघर्श स्वताच्या मनां भितर लेगीत जावं शकता. कारण विरोध हो कथांनी येता आनी संघर्शाच्या आदारानूच कथा मुखार सरता.

जयमालाच्या कथांनी संघर्श आयला. कथेंतली पात्रा आपल्या भितर झुजता हें दिसता. 'आंकवार मोरी' कथेंत सुरवात ते शेवट मरेन सुमित्राच्या आयुशात संघर्श आयलां. लग्ना पयली ते दिनकरा वांगडा संबद दवरता आनी उपरांत लग्नाक एक म्हयनो आसा जाल्यार मोटार घेवन बेळगांवा गेल्या दिनकराचो अपघात जाता आनी तांचो जीव वयता. सुमित्रा

त्या काळात गुरवार जाता. ताकां आपलो आनी दिनकराचो अंश भायर उडोवपाक नाका आसलो. सुमित्राक घरची विरोध करताली पूण ताणे कोणाचे आयकले ना, समाजाचो विचार लेगीत केलो ना. आपल्या भुरग्यांक ल्हानाचे व्हड केलो. समाज तांका हिणसायता आंकवार मोरी म्हणटा तरी पूण ते सोंसता. आनी एक दीस ताची सून तांका आंकवार मोरी म्हणटा. तेन्नाच्यान ते आपल्या पूतांच्या सवसारांतल्यान पयस रावूंक सोदता. आपल्या जिविताच्या संघर्शाक आपल्याक तोंड दिवपाक जाय अशें चिंतून ते आपल्या मनांक समजयता आनी घर सोडपाचो निर्णय घेता.

'झोंपाळो' कथेंत आशा आपल्या मनां कडेन संघर्श करता. सगळें सुख आसून लेगीत ताचे कडेन मनांचे सुख नासता. आपूण संवसाराक सगळें दिल्ले पुण आपल्या खातीर कोणाकूच वेळ ना. भुरगीं आसून लेगीत भायल्या गांवांत आसा. एक बायल मनीस आपल्या घरच्यांक सगळें दिता. आपल्यो स्वताच्यो इत्सा आंकाशा मारता आनी दुसऱ्यांच्या सूखा खातीर जगता. आशाचे सपन आसता, आपल्या घरांत एक झोंपाळो आसचो पूण मुबंय सारकिल्या शारांत ते शक्य नासता. पूण घोव ताका गांवात बंगलो बांदून थंय एक झोंपाळो लायता. त्या झोंपाळयाचेर बसोन आशा आपल्या मनांतले त्या झोंपाळया कडेन वेक्त करता. आपूण जिवीतांत हारले अशें आशाक जाणवता. ह्या संवसारांत हांव एकले पडलां म्हूण निराश जाता आनी तांतून तांका डिप्रॅशन जाले.आशा आपल्या मनांच कडेन संघर्श करतालें.

तशेंच चित्र 'गिरेस्तकाय' ह्या कथेंत निकीक जाणवता सगळें सूख आसून घोवाचो वेळ ताका मेळानासलो. निटू कंपनीच्या कामांत आनी आपलो करयर करपाक वेस्थ आसलो तांका निकीचे पडिल्ले नासले. निकिक कितें जाय हांचो तो विचार लेगीत करिनासलो. निकीक भुरग्यांची आवड आशिल्ली. पूण निटू भुरग्यांचो तिरस्कार करतालो. आनी ह्या भंयान निकीन केन्ना आपले मन निटू कडेन वेक्त केले ना. आनी निटूच्या सांगण्यान ते पील घेताले. तांचो आपल्या मनां कडेन संघर्श चलतालो आपूण जे कितें करता ते सारखे न्हय

हे ताका जाणवताले. सैमाविरूध्द वचून येवपी जीवाक आडावन धरतां, न्हयकारतां, दारां कवडां घट्ट बंद करून घेतां तनामनाचीं आनी दोळयांतल्यान व्हांवपी दुकां उशाभितर जिरयत तें तशेंच पडून रावलें.

'सुड' कथेंत बाबली पिसो जाता आपली बायल यशोदा मराठी मास्तरा वांगडा पळून गेल्ल्या कारणान तो आपली मानसीक स्थिती वडगयता. तो गांवात पिसो कसो वांगता. ताका कोणूय मराठी उलोवपी दिसले, तशें तो तांच्या फाटल्यान धांवतालो. ताच्या मनान सूडाची भावना निर्माण जाल्ली. आपल्या सूखी संवसाराचे वाटोळे त्या मराठी मास्तरान केल्या कारणान तांच्या मनांचो घुस्मटकार जातालो.

तशेंच 'मामाची चली' कथेंत लेगीत निमा आपल्या वांगडा उमेश लग्न जावपाक ना म्हणील्यान ते सयरभयर जाल्ले. ताच्या मनांचेर हो खोल परिणाम जालो. निमान ल्हानपणां साखून पयिल्या सपणांची नाशाडी जाल्यान ताच्या मनांचेर ह्या सगळ्या गडालीचो प्रभाव पडिल्लो आनी ते पिशें जाले. संकश्टाक तोड दिवपाक जमले ना कारणान ताची ही परिस्थिती दिसता.

'पुतोवाली' कथेंत चली चल्या मदीं भेद दिसता. बन्नोक चली जाता म्हणून तांच्या चेडवाक मारून उडयता. ताचेर घरांत अत्याचार जाता, घोव लेगीत समजून घेना. आनी उपरांत दुसरें फावट चली जाता. पूण ह्या वेळार तें उगी रावाना. आपल्या भुरग्यांक घेवन ते तो गांव सोडटा. हातून एक आवयचो संघर्श आपल्या चलये खातीर जाणवता. आपल्या भुरग्यां खातीर आवय कितें करू शकता हे दिसता.

'मीन' कथेंत कामगार वर्गाचेर कशें अत्यातार जाता. आनी खासा करून ती एक बायल आसता तेन्ना तिकां पळोवपाचो दुश्टीकोण ह्या कथेंत जाणवता. मध्यमवर्गीय लोकाक पयशें मेळोवपा खातीर संघर्श करचो पडटा. आनी जेन्ना त्या घरांची जबाबदारी एकल्या

शेंवत्याचेर आसता तेन्ना तांचे कडेन आनी उपाय नासता. शेंवते खणीर कामांक वयता. पूण थंय मुकादम ताका वायट नदरेन पळयता. शेंवत्याक ते मानवना ते काम सोडटा. आनी शेतान भाटकारागेर कामांक वयता. पूण थंय लेगीत भाटकार तांचेर बलात्कार करता. शेंवत्याक आपल्या अस्तित्वाचो संघर्श करचो पडटा. आनी शेवटाक ते आपल्या मीनाच्या खणीचेर कामांक वयता. तांचे कडेन आनी कांय उपाय नासता. मध्यमवर्गीय समाज कसो चेंपता, तांचे दूख, तांचो मनांचो संघर्श ह्या कथे भितर दिसता.

## 4.6 निवेदन शैली

निवेदन वा कथन हे कथेचे एक म्हत्वाचे आंग. कथाकार कथा सागपाक एक पात्र वा निवेदक तयार करता आनी त्या निवोदकाच्या वा पात्रांच्या माध्यमातल्यान वाचकांक कथा सांगता. निवेदक हो बरोवपी तशेंच वाचपी हांच्या मदलो मनीस कसो वावुरता. निवेदन करपाच्यो दोन तरा आसता. एक प्रथम पुरुशी निवेदन आनी दुसरें तृतीय पुरूषी निवेदन आसता. प्रथम पुरुशी निवेदन हे कथेंतले एक पात्र जावन म्हणजे निवेदक हांव नांवाचे एक पात्र जावन कथेंत येता आनी तृतीय पुरुशी निवेदन हे कथे भायलें निवेदक पात्र आसता. केन्ना हो निवेदक कथेंचो पुराय गिन्यानी, गवाय आसता जाल्यार केन्ना तो तसो आसना. तो फकत एक सामान्य नियाळ करपी आसता. कथेचो निवेदक केन्ना घडणुकांचे नाटयात्मक दर्शन घडयता, जाल्यार केन्ना तो एकाद्या पात्राच्या जाणविकायेचे थराचेर वचून अणभवांचे कथन करता.

जण एकल्या साहित्यकाराची आपली अशीं निवेदन करपाची तरा आसता. जयमाला दणायत हांच्या चडश्या कथांचे निवेदन हे तृतीय पुरुशी आसा. 'पारजत' कथेत मात प्रथम पुरूशी निवेदन जाला. कथेंतले पात्र हांव जावन आयला. 'पाल' कथा आनी 'कावळो

कावळी' कथेंचे निवेदना भितर निरजीव प्राणी भितर जीव घालून तांच्या माध्यमातल्यान समाजान चलपी विशयाचेर भर घातल्या.

मनशांच्या अंतर मनांचो ठाव घेवन ताका आपल्या परिन प्रतिका वापरून त्या पात्राचे मन लोकां मुखार मांडपाचे काम जयमालान आपल्या निवेदनाच्या माध्यमातल्यान केला. 'बेनल्ल' कथेंत वीणा आपल्या मनांची वेतां सांगता. 'बेनल्ल जशी दुसऱ्या झाडाचेर तांच्या आदारानूच पोसवता. तिका वेगळें जियेवंक येना, तीच अवस्था जाल्या म्हजी आज'[16].

'पावर कट' कथेंत निलिमाच्या मनांची मानसिकता., तांच्या मनांचो ठाव घेवपी वातावर्णन लेखिकेन रचला. एक निवेदक बरो आसता तेन्ना त्या पात्रां भितर कितें तरी चला हे सहज जाणवता आनी ते निलिमाच्या बाबतींन जाले. 'सद्दांचें शेवणें मान सकयल घालून ओग्गी पारजताचे खांदार बसून आशिल्लें. ताका ओगी आशिल्लें पळयनाफुडें, ए उठ गो ऊठ करपी आवयच्या रूपान उठोवपी शेवणें आयज सामकें तोंड धांपून आशिल्लें'[17].

दर एकां लेखकाची अभिव्यक्त जावपाची आपली अशी खाशेली निवेदनशैली आसता. आपल्या साहित्यांचे कथन वा निवेदन करता. लेखकाची आपली अशी खास बरोवपाची शैली आसता तांतून ती कथा फुलयता, पात्रांचे भावविश्व प्रगट करता आनी वाचकां मुखार मांणटा.

## 4.7 भास शैली

कथेंची भास ही एक कल्पीत संवसाराची भास आसता. ज्या अर्थान कवितेची भास सदांच्या भाशेपरस वेगळी, मन ओडून घेवपी आसता तशी कथेची भास नासता. ती सामान्य प्रमाणात गघ, वेव्हारांतल्या वळखिच्या भाशेचो आभास निर्माण करपी आसता. भास पळोवपाक गेल्यार तो निवेदकाचोच घटक कसो आसता. कथाकार कथेंत भाशेचो वापर वेगळेच रितीन करता. भास जेन्ना कथेंत वापरता तेन्ना कथेतलें वातावरण, पात्रा कथेंतलो समाज, गांव... ह्या सगळ्या मुद्याक धरून कथेंची भास थारावची पडटा. देखी भास पात्राच्या पिराये प्रमाण एकांदे पात्र ल्हान पिरायेचे आसा जाल्यार ताचे संवादा भितर लुबडेपणा, तांची भुरग्यांची भास तांका सोब सारकी आसता. तशेंच जाणटे पिरायेच्या पात्रा भितर तांचे विचार दिसता, तांचे अणभव जाणवता. जात- धर्मा प्रमाण भास पात्राक वापरची पडटा. ज्या तरेची शैलीची गरज आसता, तशींच शैली कथेंत येवप गरजेचे आसतात. देखीक गावडां समाडाची भास तशेंच बाम्हमणाची भास आदी आनी हांच्यो कांय देखी कथांनी आयल्यो पळोवपाक गावता.

'नोट चलयली' कथेंत साश्टी मोडीचो वापर केलां. 'मोडीवे नाय बाबा चोय आस्तले बोल्सांत सुद्रयान म्हळ्ळें'[18]. जयमाला दणायत हांच्या कथांनी आसपाविल्या भाशा शैलीचो अभ्यास करतना तिणे वापरिल्ली भास कथेंच्या वातावरणाक सोंबता तशी आनी त्या समाजाच्या पात्राक धरुन भाशेचो वापर केल्लो दिसता.

'खास्त' कथें भितर खासा कांय आदल्या उतरावळीचो उल्लेक जालो पळोवपाक मेळटा. 'कितें शाणेबाब कशें चल्लां तुमगेलें नाल्लांचे नेगोंस'[19]. तशेंच 'अंगोस्तर' कथेंतले अंगोस्तर उतर.

'पुतोवाली' कथेंत हिन्दीचो वापर जाला. कथेंत त्या स्थळाक दरून त्या गांवची हिंदी भास कथेंत आयलां. मेमसाब अपना स्टेशन आ गया. तशेंच खट कथेंत आप अकेली क्यूं रहती हो इस अनजान गांव में? माँ-बाप के पास क्यों नहीं रहती? तशेंच तांच्या हेर कथांनी इंग्लिश भाशेची उतरावळ तशेंच वाक्या पळोवपाक मेळटा. देखीक सॅटल, जोक. प्रेगन्सी, प्रेशियस, व्हॅल्युएशन, परफॅकशनिस्ट, इनलॉस आदी... ''हॅलो समीर, व्हॉट अ प्लॅजट सरप्रायज!''.

कथांनी म्हणी, वाक्य प्रचारांचो वापर जाला. उदका तुजो रंग कसलो, जांतून घालता तसलो., कावळो वसूंक आनी खांदी मोडूंक. कुचकुचता एके कडेन आनी हांवे खरपपिलें दुसरे कडेन. कानार केंस काडप. घर भरून दार ओत्तां. रागान फणफणप. ह्या तरेच्या माध्यमातल्यान भाशेक आनीक सोब येता. आनी तांतून कथा आनी रोमांचक जाता

# संदर्भ

1. गांवकार, भालचंद्र. साहित्याच्यो तरां, साहित्य एक भासाभास. प्रकाशक मित्र, किटोलें, बोताडे-फोंडे गोंय,1998 पान 45
2. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978. पा. 54.
3. गांवकार, भालचंद्र. साहित्याच्यो तरां, साहित्य एक भासाभास. प्रकाशक मित्र, किटोलें, बोताडे-फोंडे गोंय,1998 पान 45.
4. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014.पा.25
5. वयलोच संदर्भ,पा.145.
6. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978. पा.138.
7. वयलोच संदर्भ,पा.67.
8. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.144.
9. गांवकार, भालचंद्र. साहित्याच्यो तरां, साहित्य एक भासाभास. प्रकाशक मित्र, किटोलें, बोताडे-फोंडे गोंय,1998 पान 47.
10.दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.144.
11.दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020.पा.
12.दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978. पा.91.
13.दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.116.
14.वयलोच संदर्भ,पा.156.
15.दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014. पा.14

16.दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.143.

17.दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014.

18.दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978. पा.99.

19.दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978. पा.22.

20.मावजो, दामोदर. कथा एक नियाळ , कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती, कोंकणी भवन,शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर,मंडगांव,गोंय, कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003, पान 226.

21.नायक, हेमा. *सहजीवन संघर्श समन्वय आनी प्रतीमा*, 'बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य'- संध्या शेटये, फोंडे-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन,1989.

22.कोंकणी कथा-विकिपीडिया. gom.m.wikipedia.org.

# पांचवे प्रकरण

## प्रकरण 5 जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायल प्रतिमेचें निरिक्षण

5.1 दणायत हांच्या कथांतली बायल प्रतिमां

5.2 दणायत हांच्या कथेंतली बायलेची आर्थीक स्थिती

5.3 दणायत हांच्या कथांतली समाजाचो अन्याय सोंसपी बायल

5.4 दणायत हांच्या कथेंतली कुटुंबीक बायल

5.5 दणायत हांच्या कथेंतली बंडखोर बायल

5.6 दणायत हांच्या कथेंतली पुर्विली आनी आर्विल्ली बायल

5.7 दणायत हांच्या कथेंतली बायल-दादलो आंतरीक संबद

# प्रकरण 5 जयमाला दणायत हांच्या कथेंतल्या बायल प्रतिमेचें निरिक्षण

## 5.1 दणायत हांच्या कथांतली बायल प्रतिमां

'बायल ही समाजाची एक म्हत्वाची घटक. तीच आदीमाया, सातेरी तीच संवसाराची निर्माती नव्या मनशाक जल्म दिवपी तीच माय-माउली. दादल्यांपरस तिच्याच वाट्यांक हांगा चड दुख्ख आयलां, तिचोच चड धळ जाता.'[1]

जयमाला दणायत हांच्यानी बायल मनशेंची रुपां, तिचे अस्तित्व तिचे म्हत्व, तिचीं सूख-दूख, उमाळें योग्य तरेन कथेंत अधोरेखीत केल्यांत . तिचे आपल्या कुंटुंबा कडेन आशिल्ले नातीं तशेंच तांच्या विशीं आशिल्लो आदर-सम्मान बायलेंचे कर्तव्य तिच्या कथांनी चित्रीत केला. समाज बायलेक कशें तरेन पळयता, कुंटुबात बायलेक कितें स्थान फाव जाता, हे सगळें कथांनी आयला. तशेंच कथांनी बायलेची वेग-वेगळी प्रतिमां उबी केलां- दुबळी, संवेदनशील, मायेस्त, दुबावी, लालची, अडाणी, संवसारप्रिय, सुसंस्कृत, जिद्दी, धकेपंजे कळनाशिल्ली, सूड न घेवपी, घोवाचेर मोग करपी, भुरग्यांखातीर आपले सर्वस्वव ओपून दिवपी, तशेंच तिचेर अन्याय जाता जाल्यार बंडखोरपणांत तांचेर आवाज उटोवपी. समाजाचो विचार करिनासतना मुक्तपणांत आपल्याक जाय तशें निर्णय घेवपी बायल दिसता. अशें तरेन ह्या सगळ्या रूपाक घेवन, बायल तांच्या कथांनी वावुरतना जाणवता.

## 5.2 दणायत हांच्या कथेंतली बायलेची आर्थीक स्थिती

घरांतली सगळी कामां करून आयची बायल आपले सगळें घर संवसार सांबाळून नोकरी करता आनी आर्थीक नदरेन आपल्या घोवाक लेगीत मदत करता. एकाची जोड कुटुंब चलोवपाक पावना. भुरग्यांचे शिक्षण, आवय बापायची भलायकी तांचे वखद-पाणयाचे

सगळें पळोवचे पडटा. युग बदल्ला तशेंच गरजो बदल्ल्यात आनी त्यो गरजो पुराय करपाक बायलेक घरा भायर सरचें पडटा. बायलां कामाक फकत गरज अश्या नदरेन पळयना, जाल्यार बायल आपली इत्सा, आवड म्हणून काम करता. आपल्याक आवय-बापायन शिकयला त्या शिक्षणाचे सार्थक जावचें आनी आपूण आपल्या पायार उबे आसा हे समाधान आपल्या आनी आपल्या आवय-बापायक जावचे अशें ती चिंतां. पुरूश प्रधान संस्कृतीन बायलांनी दादल्या परस वयर सरपांक जायना असो समज केला. जी बायल आर्थीक नदरेन समर्थ ना. तिकां कोणाचेर तरी आधारून रावचे पडटा. आनी ह्या चेपणें खाला रावून तिकां सगळ्या कडल्यान आयकोन घेवचे पडटा अन्याय सोंचो पडटा.

'वाळवण' कथेंतली विधवा रांडाव बायल सुमित्रा आपल्या परीन ल्हान व्हड काम करताली. आपल्यो तश्यो आपल्या भुरग्यांच्यो गरजो भागोवपाक लागून दीस-रात काम करताली. संवसारांचो भार तिचेर आसलो. घोव आसून लेगीत तांचो आधार तिका नासलो. कारण तो दीस-रात पियातालो, तिकां मारतालो, त्रास दितालो. घोव मेल्या उपरांत समाजाची वायट नदर तिचेर आसली- 'तरणाटी विधवा रांडाव बायल म्हण वाटेवेलें रानफूल कशें, रस्त्याकुशीच्या तळयांतलें साळीकच कोणेंय येंवचें आनी खुडून व्हरचेलो भंय चड'[2]. अशें तिका सद्दांच जाणवतालें, तरी आसतना आपल्या दोन भुरग्यांक शिकोन व्हड केले. कंत्राटांच घेताली ती लोकांचे पापड वोडयांची, शेवयांची आनी अश्या तरेन कश्ट करून जोडटाली. हे सगळें करून तिणें आपल्या भुरग्यांची लग्ना लेगीत केली.

बायल जेन्ना आर्थीक नदरेन समर्थ आसता. तेन्ना ती आपले निर्णय स्वता घेवूंक शकता. 'सांगशी पूण सांगूं नज' कथेंतले क्ष्वेताक तांची माय कामाक वयता म्हूण तोमणे मारताली. तांचेर सगळें काम घालताली. सत्यतली आनी आपल्या आवयचे सागणे ताचो घोव लेगीत त्रास दितालो. आनी एक दीस घोवान तांचेर तापाट मारिल्ले म्हूण तांणे आपल्या घोवाचो आनी मांयच्या त्रासचो विरोध करून ते घर सोडीलें..

घरांतली सगळी कामां करून लेगीत आयची बायल आपलें काम सांमाळटना दिसता. कांय वेळां तिकां आपल्या घोवाचो लेगीत तेंको नासता. तरी लेगीत ती आपलें काम सोडीना. 'प्रॉब्लेम' कथेंतलें नीराचो विचार अश्याच भशेंन आसा. ते आर्थीक नदेरेन समर्थ जावपाक सोंदता कारण संवसार सामाळपाक आनी ह्या संवसारांत जगपाक जाय जाल्यार पयशें हे म्हत्वाचे आसताच.

बायल समज आर्थीक तरेन स्मर्थ आसा जाल्यार समाजान केल्ल्या कांय रूढीचो विरोध करप लेगीत शकय जाता. 'बदलतो काळ' कथेंतलें रशमी बरें शिकिले, कामाक आसले. आर्थीक तरेन स्मर्थ आसले देखून लग्न जावन लेगीत आपल्या आवय-बापयची जापसालदारकी घेवपाचो विचार ताणे सगळ्या फुडल्यान मांडील्लो.

जयमालाच्या कथांनी चडश्यो बायल्यो कामांक वचपी दिसता. त्यो मागीर गांवातल्यो वा शहरांतल्यो आसू. तांच्या भितर आधुनीक विचार आनी आपल्या पांयार उबे रावची जिद्द दिसता. आपले निर्णय स्वता घेवपाचे बळगे तांच्या भितर जाणवता. आर्थीक नदरेन समर्थ आशिल्ल्या कारणान तांच्या भितर हो बदल दिसून येता. तशेंच ल्हान-व्हड काम करून कश्ट करून आपले तशेंच आपल्या घरांचे पोट ती भरू शकता.

## 5.3 दणायत हांच्या कथेंतली समाजाचो अन्याय सोंसपी बायल

समाजान घातिल्लीं बायलांचेर बंधना हजार आसात. चली म्हूण जल्माक येतनाच समाज तिका कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हाची व्हडली वळेरीच दिता. बायलेन, चलयेन कशें रावचे तिणें कितें करचें न्हय, ह्या सगळ्या नियमांक तिकां पाळो दिवचोच पडटा. आनी जी बायल ही बंधना तोडून मुकार सवतंत्रपणांत मुकार सरता तिका समाज फाटीं वोडपाचे काम करता. तिकां त्रास दिता, तिचेर अन्याय करप जाता.

समाजान धर्म आनी जातीक चड म्हत्व दिले आसता. समाजात हो भेद भाव आजून मेरेन आसाच आनी ह्या घातिल्या बंधाक लागून बायलांक तशेंच चल्यांक आपले निर्णय घेवपाचे मोकळीक नासता. जाती भायर लग्न जाल्यार त्या चलयेक आपल्या कुळारांक फाट करची पडटा. आपली नातीं विसरची पडटा. लोकां कडल्यान आयकचे पडटले म्हणून तांच्या कुळाराची लेगीत तांच्या कडल्यान नातीं तोडटा. 'जाती-भेद' कथेंतले नीरां हे उच्चवर्गीय बाम्हण समाजाचे आसता आनी नदू हो कलवंताचो चलो आसता. आनी हे नाते समाजाक मानय नासता. आनी समाजाचो विचार करून ताच्या भावाक सदानंदाक लेगीत नीरांन नदू कडचें नातें तोडचे अशें दिसता. पूण नीरां आपल्या निर्णयाचेर ठाम आसता आनी ते पळून वचून नदू कडेन लग्न जाता. आनी ह्या निर्णयाक लागून ताच्या कडल्यान ताचो भाव सदानंद पयसावता.

जेन्ना चली भुरगें वयात येता. तेन्ना तांच्या आवय बापांयचेर ताण आयलो आसता. चलयेक बेगीन लग्न करून दिवपाक जाय ना जाल्यार समाजातले लोक कितें म्हणटलें हो विचार तांकां सतयत आसता. म्हणून 'लग्नबध' कथेंतली आवयची म्हणजे सुशिलाबायची जाल्ली घालमेल दिसता. समाजाचो तणोव तिचेर आसता आपल्या चलयेचे लग्न बेंगीन जावचे, समाजान तांका नांवा दवरची न्हय म्हूण ती स्मिता कडेन लग्नाची घाई करता.

आयज समाज बदल्ला लोकांचे विचार बदल्ला अशें कितलेंय म्हणलें जाल्यार लेगीत हे सगळें फट आयज समाज आसा थंयच आसा. तांचे विचार थंयच घुवता. लग्ना वेळार मांगपी हुंडो आतां दिना म्हटलो तरी तो नकळटा मांगप जाता. हुंडो दिना जाल्यार लग्न जावचे ना ह्या भंयान आवय- बापूय हुडो दिवपाक सोदता. 'जल्मगांठी' कथेंतले निमाचें लग्न थारता, साखरपुडो लेगीत जाता पुण नवरो तांच्या आवय-बापाय कडेन पन्नास हजार मागता. निमा हुंड्याचो विरोध करता आनी लग्न तुटां. तशेंच 'सोव्हीनीर' ह्या कथेंतली कुदांची माय आपल्या दुसऱ्यां चल्याचे लग्न थारावपाक वयता तेन्ना ती उलयता आसतना

नकळत हुंडो मागता- ''आपले चलयेक कांय कोण उक्त्या गळ्यान उक्त्या हातांनी थोडेंच धाडा घोवागेर. तुमकां तुमचें चलयेक कितें दिवचें आसा तें दियात. तितली तुमी आसात आनी घालतलें तें म्हडें कांयच म्हणोंण ना..''[3]. आनी अशेंच तरेन कुदांच्या वेळार होच तरेतो प्रसंग घडिल्लो त्या वेळार तिणें धा हजार मागिल्ले. ह्या तरेची फसवणूक आनी त्रासाक बायलांक लग्ना वेळार फुडो करचो पडटा.

घोव-बायलेचे नातें हें फक्त शरीर सुखा खातीर जोडलां असो समाजाचो समज आसा. लग्न जाल्या उपरांत बायलेन आपली जीण घोवाच्या हातीन दिवची, घोवच तिजो सर्वस्व मानप अशीं समाजाची वृती आसा. संबद साता त्या वेळार आपल्या बायलेची इच्धा आसा कांय ना हांचो विचार घोव करिना आनी त्या कारणांक बायलेक खूब दूख सोशें पडटा. आनी ह्या दुखाक बेनल्ल कथेंतलें वीणा समोर वयता. वीणाचो घोव तांचेर आपले हक्क गाजयता विनोद म्हणटा-'लग्नाची बायल आसा तूं म्हजी. हक्कच आसा म्हजो तो. आतां तुडें कर्तव्य तूं कर'[4].

घोवाचो हक्कच तो मारपाचो तांणे कितें केल्ल्यार बायलेन मुख्यापणांत तांचे त्रास सोंसपाक जाय असो समज आसा आनी घरातली माय- मांवा कडल्यान देरा कडल्यान जाली स्तवणूक सोंसपाक जाय कारण एके बायल मनशेचो गूणूच तो असो समज समाजाचो जालां. आनी ह्या समाजाच्या बंधनाक लागून कितल्याच बायलांक त्रास कश्ट सोंचे पडटा. 'सांगशी पूण सांगूं नज' भितरले क्ष्वेता, 'गर्भवाळटी' कथेंतलें सविता. 'कशीं रे पडली भूल' कथेंतलें मेधा. 'बिटयाबिटें' कथेंतलें अनिता, 'जळटा तांकांच कळटा' कथेंतलें उषा. ह्या सगळ्या बायलांचे एकांच तरेचे त्रास जाणवता. बायलेन घरची जबाबदारी घेवची काम सोडल्यार जाता. आपले मन मारून घरचाचो आपल्या घोवाचो, भुरग्यांचो विचार पयली करपाक जाय आपल्यो सगळ्यो इत्या, आकांशा मारून आपलो संवसार सामाळपाक जाय. ह्या विचारान 'ओन्ली हावसवायफ' कथेंतली बायल निरक्षता. पुरूषप्रधान

संस्कृतायेंतल्या खंयच्याच दादल्याक बायल वरचड जाल्ली केन्नाच नाका आसता. बायलेची नोकरी दुय्यम गरज पडल्यार करप ना जाल्यार ना. ती गृहीणी, हावयवायफ घर चलोवप हें तिचें काम.

आयज लेगीत समाज अनैतिक नात्याक वायट नदरेन पळयता. समाजान आयज प्रतेक मनशांक वेक्ती संवतंत्र आसले जाल्यार लेगीत. मनशाक आपल्या आयुषातलें निर्णय घोवपाक मेळना. तांच्या निर्णयाक समाज वायट नदरेन पळयता. समाज हो फक्त बायलांच्या वायट दिसपी कर्तुवांचेर आपलो दोळो दवरून आसता. 'अंगोस्तर' कथेंतलो बाबुसो आनी मोगाचे नात्यांक समाज हिणसायता, नाकां नाकां ती नांवा दवरता.

एकांदी बायल एकटी दिसली कांय तिची फकाणां करप हो पुरषाचो स्वभाव आमकां पळोवपाक समाजात दिसता. आपले वर्चस्व गाजोवपाक तो करता. समाजात दादले आपल्या शरीर सुखा खातीर चल्याचेर बलात्कार करता. फाटलें-फुडलें कांयच चिती नासतना त्या चलयेचेर बळजबरी करता. त्या चलयेचे आयुश बरबाद करपाक तांकां व्हडलेंशें कांयच दिसना. आनी ह्या अत्याचाराक 'पावर कट' कथेंतलें निलिमाक सामोर वयचें पडटा. ह्या जाल्या घडणूकेत ताची मानसिकसिथ्ती वायट जाता. लोक कितें म्हणटले ह्या विचारान बापूय केस करपाक लेगीत फुडें सरना. निलिमाचेर अत्यातार करपी लोकांकाचो गुन्याव आसतना. एक बायल मनशेक गुन्यावकारी अशीं जाणविकांय हो समाज घडोवन दिता.

## 5.4 दणायत हांच्या कथेंतली कुटुंबीक बायल

बायल कुटुंबात तिची प्रतेक रपां, कर्तव्या, तिची नाती घेवन वावुरतना दिसता. 'सोशीक सोज्वळ समर्पित, शिलवंत, संवसारप्रिय, संयमी आनी सतीसावित्री अशा रुपांतल्यान वळख जाता.'[5] . एक बायलेची कितलींशींच रुपां आसता. एक चली, आवय, सून, माय, भयण आदी.. आनी समाजांत वावुरतना ह्या सगळ्या रुपांचो तिकां पाळो दिवचोच पडटा. बायलेक आपल्या कुटुंबा विशीं आशिल्यो जबाबदाऱ्यो घेवच्यो पडटा. बायलेक धरूनूच कुटुंबीक संकल्पनेक आकार येता. दादल्याच्या यशा फाटल्यान बायलांचो हात आसता. अशीं म्हणी आसा कारण एक बायल खंयच्या पुरशाफाटल्यान घंबिरपणांत उबी रावता. तो मागीर तिचो भाव जांव वा घोव. ती आपल्यो इत्सा आंकाशा मारुन फकत् दुसऱ्यांचो विचार करता. आनी ह्याच गजालीचो लोक फायदो करून घेता. आनी आपल्या उद्दरगतीक लागून पुरुशप्रधान संस्कृती बायलेक सकयल दवरून आपले काम सादयता.

जयमाला दणायत हांच्या कथेंतले आवयचे रुप हे मोगाळ, मायेस्त आपल्या भुरग्यांखातीर कितें करपाची धडपड दिसता. ते मागीर 'नोट-चलयली' कथेंतले गांवडे सुंद्रे आपलो चेडो बरो ना म्हणून तांच्या उपचारांक पयशें जाय. म्हूण दीस-रात वावुरताना, कश्ट करतना दिसता.

'आंकवार मोरी' कथेंतले सुमित्रा लग्ना पयलीच आपल्या घोवा कडेन संबंद दवरता. आनी लग्नाक कांय दिस आसा जाल्यार तांच्या घोवाचो अपघात जाता. तांतून ते उपरांत गुर्वार जाता. ताका आपल्या भुरग्यांचे एबोशन करपाचे नासता. भुरग्यांक लागून ते समाजाचो, लोक कितें म्हणटलें हांचो विचार ते करिना. स्वता आंकवार मोरी रावन कोणा कडेन लग्न जाय नासतना, समाजाचे तोमणे आयकोन लेगीत आपल्या चेड्याक ल्हानाचो व्हड करता. निस्वार्थ मोग एक आवयचो आपल्या चेड्याचेर आसलेलो पळोवपाक मेळटा.

'सुकती केळ' कथेंतले सुनीता आपल्या भलायकेची काळजी न सामळटा आपल्या भुरग्याची चितां, घरांची चितां करपी आवय दिसता. भुरग्यांची परिक्षा तरी जावंदी. "मागीर पळोवंया"[6].

'पुतोंवाली' कथेंतले बन्नो आपले घर सोडटा. बन्नोक परतून चली जाता. आपली घरची परत एक फावट आपल्या चलयेक मारून उडयतली कारण तांका चलो जाय आसता. ताका लागून ते आपल्या भुरग्यांचो जीव वाटोवपाक ते घर, तो गांव सोडून वता. आवयपणांचे बळगें तांका हो निर्णय घेवपाक फुडें काडटा. सार्थक कथेंतले सीमांता आपलो घोव मेल्या उपरांत लेगीत आपल्या चेड्वाक व्हड करून लग्न करता. आवयची भुमिका कथांनी धिटायची चित्रीत जाला.

बायल म्हूण एक अस्तुरी आपले कर्तव्य पार करता तेन्ना तिकां सगळयांच वटेन सगळयांचो विचार करचो पडटा. ते पार करताना तिकां खूब त्रास, कश्ट सोंशें पडटा, आपल्यो इत्या,आकाशा मारून संवसार पळोवचो पडटा. बायलची जीण घर साळपाची हिच तडजोड तिच्या आयुशीची म्हणून तिचेर दुल्कश करप जाता. 'बेनल्ल' कथेंतले वीणा आपल्या घोवाचे त्रास मोन्यापणांत सहन करता. आपले कर्तवय अशें तरेन ती मानून आपली जीण सारयता.

'गिरेस्तकाय' कथेंतले निकी आपल्या घोवाच्या मोगाक आशाता. तांका आपल्याक भुरगें जावचें अशें दिसता. पूण तांच्या घोवाक निटूक भुरगें नाका आसता. आपल्या घोवाची इत्या म्हूण ते भुरगें जावचे न्हय ताका लागून पिलस घेता. आपल्या मनांचो, आपल्या सूखाचो विचार करिनासतना ते आपल्या घोवाचो विचार करताना दिसता.

बायल म्हणून सोंशीक जाल्यार दुसरे वटेन बंडखोर पणांत विरोध करपी बायल लेगीत चित्रायलां. सहन शक्ति जेन्ना सोंपता तेन्ना एक बायल आपलें घर आपलो संवसार सोडपाक फाटीं रावना. 'कशी रे पडली भूल' *कथेंतले* मेधा आपल्या घोवा कडल्यान कसलेंच सूख मेळना, मेधाक तांच्या घोवान बायलेचे सूख केन्नाच दिल्ले ना. म्हूण ते ताका सोडून आपल्या कुळांरा येता. , 'सांगशी पूण सांगू नज' क्ष्वेताचेर जेन्ना घोव तोंडार थापाट मारता तेन्ना ते लेगीत घर सोडटा.

बायलमनीस दुसऱ्या बायल मनशेचे मन समजो शक्त. पूण जायते फावट बायलांचेर बायलां कडल्यान अन्याय जालो पळोवपाक मेळटा. घरां भायर जालो अन्याय सहजपणान दिसता पूण चार वण्टी भितर एका बायलेचेर जावपी अन्याय सहजपणान कोणाक दिसना. एक सून म्हणून तिकां ही तडजोड करची पडटा. मांय कडल्यान त्रास सहन करचो पडटा. सगळयोच मांयो तश्यो नासता कांय मांयो सोडल्यार तांच्या भितर हो दोश आसता. सून कामाक वयता, सूनेक भुरगें जायना म्हणून सत्यता. 'कशी रे पडली भूल', 'सांगशी पूण सांगू नज', 'जळटा ताकाच कळटा' कथांतले क्ष्वेता, मेधा, उषाक मांय कडल्यान तोमणे आयकचे पडटा. जाल्यार दुसरे वटेन 'वाळवण' कथेंतले सावित्रीबायेन आपल्या सूनेक प्रेमान सामाळां, 'एक जीण खीण खीण' कथेंत मांय आपल्या सूनेक तिचो घोव मेल्यान सामाळून घेता तिचे मन राखता. 'मनांत पडली पाल', मिनू आनी वांसतीचे अपुरबायचे नातें. 'सेंडवीच' कथेंतले सुमती आनी तिची सून अंकिता भितर समजूदारपण एकां-मेकांक साबाळून घेवपी वृती जाणवता.

## 5.5 दणायत हांच्या कथेंतली बंडखोर बायल

बायल मनीस ही सदांच समाजा कडल्यान सोशित आयिल्ली आसता. तिचेर जावपी अन्याय, त्रास, कश्ट ती मोन्यानी सोंसता. हे सोशण एकांच व्यक्ती कडल्यान जायना जाल्यार समाजांतल्या प्रतेक मनशांकडल्यान जाता. तिकां समाज सतयता हे जितलें खरें, तितलेच तिचेर अन्याय आपल्या कुटुंबाकडल्यान लेगीत जाता. ते मागीर बापूय आपल्या धुवेचेर करता, आवय आपल्या धुवेचेर, माय आपल्या सूनेचेर, घोव आपल्या बायलेचेर वा भाव आपल्या भयणीचेर करता.

बायलेक सगळ्यांकडल्यान आयकप हो तिचो गूण धर्म अशे समाज मानता. हें सगळें दुख कश्ट अन्याय सोंसून घेवप हे आपलें कर्तव्य अशें बायल आपल्या मनांक समजयता. आनी आपली सहन शक्तीचो वापर ती करता. पूण कांय बायलांक हो अन्याय जेन्ना सोंसपाक जायना तेन्ना तांच्या सहन शक्तिचो अंत जाता. आनी ती मागीर मुक्तपणांत बंडखोर वृत्ती आपल्या आयुशात आपणयता आनी तिचेर जावपी अन्यायक फुडों करता. अश्याच तरेच्यो बायलो आमकां ह्या कथांनी चित्रायलो पळोवपाक मेळटा.

समाजांतल्यो चाली- रिती, समाजाचे नियम आनी समाजाचो बायलां विशीं पळोवपाची नदर आजून बदलूक ना. समाजांच्या विरूध जेन्ना एकली बायल मनीस आपलो निर्णय स्वता घेता आनी तो निर्णय समाजान घातिल्या चौकटी भायर आसता तेन्ना त्या बायलेचो आनी तिच्या निर्णयाचो विरोध जालो पळोवंक मेळटा.

समाजांत अंतर-जाती लग्नाक विरोध आसता. तेन्ना 'जती-भेद' ह्या कथेंतले नीरा सगळ्यांचो विरोध करून आपल्या आयुशाचो आनी फुडाराचो निर्णय ते मुक्तपणांत घेता. निराक भावचो विरोध आसता. कारण निराचो घोव हो कलंवताचो चेडो आसलो आनी नीरा सकल्या जाती वांगडा आपले नातें जोडटा हे कोणांकच मान्य जायना.

कुटुंबीक त्रासाक आनी घरांत घोवाचे आनी मांयची सतवणूक जावंन एक बायलेची मानसिकता इबाटा. ती सगळी सतवणूक सोंसता. पूण तिच्या सहन शक्तिचो अंत जाता आनी आपल्या खातीर समाजाचो विचार न करता आपल्याक जाय तो निर्णय घेता. 'सांगशी पूण सांगूं नज' ह्या कथेंत क्ष्वताचो घोव सुधीर तिच्या तोंडार मोठ्यान थापट मारता तेन्ना क्ष्वेतान कसलोच विचार करिनासतना आपल्या घोवाचे घर सोडटा.

ह्याच तरेचो निर्णय 'कशी रे पडली भूल' ह्या कथेंचलें मेधा घेता आपल्या घोवा कडल्यान सूख मेळना आनी मांय सतयता म्हूण ते घर सोडून आपल्या कुळारा येवन रावता.

'पुतोंवाली' कथेंतले बन्नो जागृती जाता. बन्नोक दर फावटी चली भुरगेंच जाता म्हणून ताका त्रास दिवप जातालें. पोटांत भुगरें आसतना भुरग्यांचे लिंग तपासता. चली भुरगें आसा जाल्यार पोटांतूच मारून उडोवप जातालें. घोवाचो मार ताका खावचो पडटालो. ताच्या कुळारां लेगीत ताका कोण आपणावपाक कोण नासलों. ह्या सगळ्या त्रासांतल्यान मुक्त जावपाक तें आपल्या चलये वांगडां तो गांव ते घर सोडटा. आनी तांच्या जिवितांत एक नवें मोडन येता. तांतूतल्यान ते सावरून समाज सेविका जाता. आनी बायलांक ह्या अन्यातल्यान मुक्त जावपाचे उद्देश दिता. बन्नोच्यान ते धाडशी, आत्मनिर्भर वृतीचे जागृती जाता.

एक चली भुरगें जेन्ना लग्न जावंन आपल्या घोवागेर वता, तेन्ना तांच्या फाटल्यान आपल्या आवय बापायक आपूण पळयतलें आनी गरज पडल्यार आपल्या आवय-बापांयक आपल्या घोवा घरां हाडून दवरतलें ह्या तरेचो निर्णय आपल्या घोवाच्या घरच्यांक सांगपी रश्मी आमकां 'बदलतो काळ' ह्या कथेंत दिसता. तें बंडखोर पणांत आपलें विचार मांडटा ते म्हणटां- 'हांव म्हजें आवयबापायचें एकलें एकसुरे चली! म्हजी आवयबापूय सध्यातरी घटमूट आसात, आपलीं कामां आपूण करतात. पुण फुडें ती जाण्टी जातगीच कितें करतलीं ? म्हका भाव ना भयण? म्हणून चितां दिसता. हांव लग्न जावन तुमगेर येतगीत कितें? तीं

जाण्टी जातगीच, तांच्यानी जायना जाल्यार तांकां, हांव म्हगेर दवरूक शकतां? हांव तुमचें करतलें, तांचेंच करूक जातलें? तशें जाल्यार म्हाका लग्न करपाचें आसा'[7].

'लग्नसंस्था' कथेंतले सोनू आपल्या लग्ना बद्दलचे विचार मुक्तपणांत आपल्या आवय कडेन मांडटा. समाजाचो समज आसा की चली भुरग्यांन बेगीन लग्न जावपाक जाय आपलो घर संवसार सांमाळपाक जाय पूण ह्या विचाराची पर्वा सोनू करिना. आनी 'लग्नबध' कथा भितर नवी युवा पिळगेचे नवें विचार, आपल्या लग्ना बद्दलचे निर्णय स्वता घेवपाचे बळगें स्मिता भितर दिसता.

बायल जेन्ना रांणाव जाता. तेन्ना समाज तिकां कसलेच शुभकार्य करपाक दिना. तिचो घोव मेलो की तिची जीण सोंपता. तिका रंगा पासून, हरवी काकणां आनी फुलां पासून पयस दवरप जाता, तिकां सवाशिणे वरी सजूंक मेळना. घोव मेल्या उपरांत जेन्ना ताचे मडे भायर काडटा तेन्ना बायलेचे सगळें अंलकार काडपाक जाय अशी समाजाची, रुढी-परपरां आसा. पूण ह्या सगळ्या चाली रितीचो विरोध करपी 'वाळवण' कथेंतले सावित्रीबाय दिसता. आपल्या सूने वांगडा ही सतवणूक जांवक दिवची ना म्हणून ती मुखार येता. मडें उबारचे पयलीं जाण्टयांनी सुनेचे अहेवपणाचे अळंकार म्हूणन कुकूंम, काकणां, मणी काडचो यत्न केल्लो तेन्ना वागिणीभशेन सुमित्रा वतां. - '' खबरदार कोणे तिच्या कुकमाक हात घालो जाल्यार''[8]. आपल्या सूने खातीर ती बंडखोरपणांत सगळ्यां मुखार रावता.

## 5.6 दणायत हांच्या कथेंतली पुर्विली आनी आर्विल्ली बायल

पुर्विली आनी आर्विल्ली बायले भितर पळोवपाक गेल्यार फकत तांच्या विचार सरणेन बदल जाणवता. ती एक बायल म्हूण तशींच आसा. पूण काळाच्या बदलत्या वेळाक लागून तिच्या विचार सरणेन आमकां बदल जाणवता. बायल आयच्या आधुनीक काळार स्वताक जे मान्य ना ते ती काम करपाक फुडें वचना. आनी आपल्यांक मान्य आसा त्या कामांक ती फाटीं रावानात. अन्ययाचो विरोध करून स्वताचे निर्णय स्वताच घेवन मेकळेंपणान समाजांत ती वावुरता.

चल्यो लेगीत समाजान लग्न जाय नासतना आपली जबाबदारी स्वता घेव शकता हो आतांच्या बायलेचो विचार जो 'लग्नसंस्था' कथेंत सोनूच्या माध्यमातल्यांन दिसता. लग्नां विशींचे आपले मत आपले विचार ते आपल्या आवय कडेन उक्त्यपणांत मांडटा. लग्नसंस्था जी समाजात आदी साकून चलत आयला, तांतून बदल जावप म्हत्वाचो अशें ताका दिसता. लग्न जाल्या उपरांत एके चलयेक तांच्या स्वतंत्र विचारां सयत खोशयेन आपणायलें जाल्यार त्या चलयेचे भविश्य फुलतलें, तशेंच समाजाची उदरगत जातली.

आपलो संवसार आपणें पळोवपाक जाय घोवा कडल्यान त्रास जालो जाल्यार लेगीत तो वगी रावन सोंसपाक जाय. आपल्या घरांची, भुरग्यांची जबाबदारी घेवपाक जाय ह्या पुर्विल्या विचार सरणेची बायल 'बनेल्ल' कथेंतलें विणाच्या माध्यमातल्यान दिसता.

चलयेन लग्न जावन आपल्या आवय बापाय कडल्यान पयस वचप असो समाजाचो नेम आसलो. आनी पुर्विल्लो बायलो ह्या विचारांक कांयच विरोध करिनासतना मानताल्यो पूण आयचो काळ बदलून आयज चल्यो स्वताच्या पायार, स्वलंभी जाल्यात आनी आपलो तसोच आपल्या आवय-बापायचो सांबाळ करपाक समर्थ आसा. आताची बायल लग्न जावन लेगीत आपल्यां आवय-बापायचो सांबाळ करतले हो निर्णय घेव शकता. हो

विचार 'सार्थक' कथेंत आनी 'बदलतो काळ' ह्या कथेंच्या माध्यमातल्यान क्षेया आनी रश्मीच्या माध्यमातल्यान सुंदर आधुनीक विचार परमळटा.

'मन दोशींवटेन' कथेंतले निशा नवें पिळगेचे, विज्ञाननिश्ट-विज्ञानाचेर विस्वास दवरपी. देवाचेर भावर्थ नाशिल्लें. त्याच कथेंत दुसऱ्ये वटेन तांची व्हडली जांव आशा ताच्या विरूध देवाचेर भावर्थत दवरपी आशिल्ली.

मायची आपल्या सुने विशीं आपुलकी, आपली सून म्हटल्यार आपले चली कशें पळोवपी आमकां माय दिसता. आधुनिक विचारांची माय जाणवता. आदलें जुणाट विचार, रुढी-परपरां आनी आपल्या सूनेक आपल्या चेड्वा भशेंन वागणूक दिवपी माय वाळवण कथेंच्या सावित्रीचा माध्यमातल्यान जाणवता. आनी *'मनांत पडली पाल'* कथेंत आशिल्ली वांसती आपल्या सूनेक खूब बरें करता. सून लेगीत नव्या विचारांची काम करपी आसली लेगीत आपल्या मांयचो आधर करता. आपल्या आवय-बापाय सारखें तिका सांबाळटा तशेंच एक सून म्हणून आपली सगळीं कर्तवय पार करता.

जाल्यार दुसऱ्ये वटेन आपल्या सूनेची सतवणूक करपी तिका त्रास, तोमणे मारपी मांय दिसता. सूने कडल्यान हुंडो मेळचो ह्या उद्देशान आपल्या सूनेचेर अन्याय करपी माय आदल्या, जुनाट विचाराची दिसता.

'सोव्हीनीर' कथेंतली सावित्रीबाय हुंडो मागता. आनी सूनेन कांय हांडूक ना, तिका आजून भुरगें जायना म्हणून आपल्या सूनेचोच दोश आसतलो म्हणून तिकां त्रास करता. आनी हे 'कशी रे पडली भूल' मेधाची मांय करता.

## 5.7 दणायत हांच्या कथेंतली बायल - दादलो आंतरीक संबद

'स्त्री पुरूश संबंद हो विशय तसो फकत दादलो आनी बायल हांचे मदल्या प्रेम, प्रणय, मोग, लैगिकता ह्याच गजालींक निर्देशीत करिना तर स्त्री – पुरूश हांचे नातें, हेर साबार तरेचे संबंदूय दाखयता हें आमका मतींत दवरपाक जाय.'[१]

म्हणजे बायल दादल्या मदीं इश्टागतीचे नाते, आपलेपणाचे, मायचें नातें, आवय आनी चल्याचे नातें, भाव आनी भयणीचे नातें, घोव आनी बायलेचे नातें, बापूय आनी धूवेचें नाते. अश्या तरेचे संबद पळोवपाक मेळटा.

भाव-भयणीचे नातें हे ल्हानपणां साकून आसता ती वांगडाच ल्हानाची व्हड जाता. झगटा, माया लायता. 'तुजें म्हाजें जमना आनी तुज्याशिवाय करमना'. अश्या तरेन तीं एकां- मेका कडेन वागता. आपल्या भावा विशीं भयणीक माया आसता. जाती-भेद कथेंतले, सदांनद आनी नीराचे भाव-भयणीचें नातें. निरा पळून वचून कलवतांचो चलो नरू कडेम लग्न करता आनी त्या वेळार भावाचे नाते तुट्टा. आपल्या जाती भायर वचून नीरा लग्न जाला म्हूण सदानंद नीरा वांगडाचे  नातें तोडटा. पूण खंय तरी खोल मनांत आपल्या भयणी विशीं माया आसता. आनी जेन्ना भयणीची चीट येता आनी भयण आपल्या चलयेचा लग्नाक भावाक आपयता. आनी भाव त्या लग्नाक वयता. आदले जें कितें जालें ते विसरून आपल्या भयणीच्या मायेन तो तिचे कडेन वयतां.

तशेंच 'कशीं रे पडली भूल' कथेंत मेधा आनी बाईचे नाते. मेधाक घोव आनी घरांतली त्रास दिता म्हूण ते घर सोडून कुळारां येता. तेन्ना भाव ताका आधार दिता. आपल्या आवय-बापायक समजोन घेवन आपूण आपल्या भयणीची जबाबदारी घेता. आनी आई, बाबा, एक सांगता. 'म्हजें बाय सुखी जाल्लें पळयलेबगर म्हाका कांयच नाका. तुकां बरेतरेन

सुखान संवसार केल्लो पळेचेलेपरस दूसरें सुख नासतलें म्हजे जिणेंत'[10]. एकां भावाची आपल्या भयणीविशीं आशिल्ल्ली माया जाणवता.

आवय आनी चेड्याचें नाते 'नोट-चलयली' कथेंतले सुंद्रच्या माध्यमांतल्यान दिसता. आपल्या चल्याक लागून तिची माया, ताकां लागून कितें करू शकता हो धाडस तिच्या भितर दिसता.

'आंकवार मोरी' कथेंतल्यान सुमित्राबायचे आनी तिचो चेलो सुदिन. बापूय नासतना आपली आंकवार मोरीची जीण जगता आसतना. आपल्या चल्याक ल्हानाचो व्हड करून तांकां शिकोवन व्हड केलो, तांचे लग्न करून दिल्ले .आवयची आपली जबाबदारी तिणे योग्य तरेन तिणें पार केली बापूय ना तो भास तिणें केन्ना सुदिनाक करून दिल्लो ना.

घोव आनी बायलेचे नातें हें पवित्र आसता. एकांमेकांक समजोन घेत जाल्यार संवसार बरो जाता. एकां-मेकांची मतां पटपाक जाय. दादल्यान आनी बायलेन एकांमेकांक समजोन घेत जाल्यार तांचे नातें बरे घट उरता. पूण त्याच नात्यांन कडवट पणां येता तेन्ना ते नातें तुट्टा. हांचे कारण म्हटल्यार घोवान समज आपलेतेच खरें करित जाल्यार दोग्यांय मदी अतंर जाता. पुरूशप्रधान संस्कृतीन बायलेन घोवाचे आयकपाक जाय ,घरच्यांचे आयकपाक जाय असो समज आसा. 'कशी रे पडली भूल' कथेंतले मेधा आनी घोवाचे नातें, मेधाक बायल म्हणून घोवा कडल्यान सूख मेळे ना. आनी त्या कारणान ते आपल्या घोवा कडल्यान पयसावता.

जाल्यार *'बेनल्ल'* कथेंतले वीणा आनी विनोदाचे नातें. विनोदाक बायल ही एक वस्तू, तिचेर आपलो मालकी हक्क आनी आपल्याक जाय तेन्ना तिणें आपले आयकपाय जाय असो समज तांचो आसलो. विणाची इच्छा नासतना तांचेर बळजबरि करप जातालें.

'सांग शी पूण सांगूं नज' क्ष्वेता आनी सुधीर आपल्या बायलेचेर थापाट मारपाक फाटी रावानां. आपल्या आवयचे सांगणेन सुधीर क्ष्वेताक त्रास करतालो, तांचे कितेंच आयकोन घेनाशिल्लो.

सगळें सुख आसून आपल्या घोवा कडल्यान आपलेपणांचे, आनी तांचो सागांत मेळना म्हणून एक बायलेक मानसिक त्रास जाता. 'गिरेस्तकाय' कथेंतल्यान निटूच्या माध्यमातल्यान दिसता.

'झोंपाळो' कथेंतले आशा, घोवाक आपल्या खातीर वेळ ना, आपले मन व्यक्त करपाक कोण ना. आपणें घरा खातीर वावुरचे सगळ्यांचे पळोवचे पूण आपल्याच खातीर कोण ना विचारान तांका मानसिक त्रास जाता. असल्या परिस्थीतीन घोवाचो सांगात एक बायलेक आसप खूब म्हत्वाचे आसता.

## संदर्भ



1. नायक, रेखा रामनाथ. बायल मनीस आनी संस्कार. बिम्ब प्रकाशन , जुलय 2013,पा.33
2. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014.पा.19
3. दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020.पा. 130.
4. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.140.
5. चोपडेकार.डॉ. हनूमंत. मुक्तीउपरांतच्या कोंकणी कांदबरींतली अस्तुरी प्रतिमा. अस्तुरी प्रतिमा मुक्तीउपरांतच्या कोंकणी कांदबरींतली,संशोधन. सारा क्रियेशन, श्रीराम पर्णकुटी यशवंतनगर, फोंडें गोंय,2010 पान 99.
6. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा.99.
7. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014.पा.43.
8. वयलोच संदर्भ, पा. 19.
9. चोपडेकार.प्रा हनूमंत. पूरूश लेखकांचे कोंकणी कांदबरींतलें स्त्री-पुरूश संबंद. बिम्ब प्रकाशन,2012 पा.नं 9.
10. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा. 61.
11. म्हांब्रे,किरण. बायलांचे स्वांतत्र, सांपादक, दिलीप बोरकार, बिम्, वर्स-9, अंक 3 मार्च 2019,पा.नं 39.
12. आडारकार, नयना. बायल मनशेक समाज आदारान पळयता? संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-वर्स 9, अंक मार्च 2010पा. 5 .

# सवे प्रकरण

## प्रकरण 6 जयमाला दणायत हांच्या कथेंत बायलेचे प्रस्न

### 6.1 सामाजीक प्रस्न

### 6.2 कुटुंबीक प्रस्न

### 6.3 आर्थीक प्रस्न

# प्रकरण 6 जयमाला दणायत हांच्या कथेंत बायलेचे प्रस्न

## 6.1 सामाजीक प्रस्न

समाजांत वावुरतना प्रस्न हे येतांच. कारण समाज नेम नियम खालून दिता. बायलेक समाजांत सदांच तिच्या कमीपणांक लागून अन्याय आनी अपमान सोसचे पडल्यात. आयज घडये समाज बदलां म्हटलो, तरी बायलांक कडेन पळोवपाचो समाजांची नदर आजून बदलूक ना. कारण आयज बायल शिकून आपल्या पायार उबी आसली तरी बायलेक स्वतंत्र जीण जगपाक समाज अनुमती दिना. समाजांत वावुरतना ताकां ह्या सगळ्यां प्रस्नाक फुडो करचोच पडटा.

समाजांत वावुरतना जात, धर्म येता. त्या-त्या जाती भितर समाजांत ताकां मान प्रतिष्ठा फाव जाल्ली आसता. तशेंच 'नोट चलयली' कथेंत सुंद्रे हे गांवड्यां समाजाचे आशिल्ल्यान तांचे कडेन आपल्या चेड्याच्या दुयेसांचे पयशें दिवपाक जमचें ना म्हणून दोतोर तांका उणांक लेगता. 'चडच मात चडला हालीं ह्या गावड्यांक बहुजन समाज न्हीं हो चेव चडला हांकां. तुमकां फातरांक आनी कसलीं जाय दोतोरालीं वखदां गांवठी कोडोबिडो घेयात करून. तुमकां फातरांक आनी कसलीं आयल्यांत दुयेंसां'[1]. गावडी बायल आनी ती बी गरीब तिच्या गरीबीक हिणायिल्लें. तांकां किंकोत लेखिल्ले, हे स्पश्ट जाणवता.

'जाती-भे'द कथेंत नीराक आपल्या मोगी वांगडा लग्न जावपाक मेळना कारण तो कलवतांचो चेडो आसता. आनी कलवतांक समाजान मान नासता, अशें नदूंक दिसतालें. नीरा बाम्हण आनी नरू हो कलवताचो चेडो. हे नाते समाजान चलचे ना. तशेंच घरां-दाराचें नांव पिड्यार जातालें. ह्या उद्देशान नदूं नीराक नरू वांगडा कडल्यान फाटी ओडटालो. असले धंदे करूंक मात्तय लज दिसली ना गो तुका तू कोण, तो कोण मात्शें तरी येवजूचे आशिल्लें. तो एक जातीनच तसलो. 'पूण तूं अशें बामणाचें जावन हे धंदे करप म्हणचे

कितें'[2]. नीराचेर ह्या प्रसंगात फुडल्यान एक व्हडलो प्रश्न निर्माण जालो. समाजाचे चिंतप कांय आपल्या मनांचे.

समाजात हुंडो हो सगल्यांत मोठो प्रस्न. चलयेक लग्न जातले जाल्यार तांच्या आवय-बापाय कडल्यान हुंडो मागप जाता. कितल्लिशींच वर्सां जाल्ली ही रीत आसा तशीं आसां. हुंडो आता ना म्हटलो तरी नकळट तो मांगप जाता. 'जल्मगांठी' कथेंत निमाचो साखरपुडो जाता. लग्नाक चार दिस आसा जाल्यार ताचो नवरो तांचा आवय-बापाय कडेन 50 हजार मांगता. आनी निमा ह्या लग्नाक विरोध करता. ताकां खूब वायट दिसता. साखरपुडो जाल्यान आपली आनी आपल्या आवय-बापायची लज जाल्ली समाजान म्हणून ते मनांतल्यन खजता.

'सोव्हीर' कथेंत चलयेंच्या लग्नाची खबर पुराय गांवांक कळटा. मुंकुदांची आवय हुडो मांगता आनी 10 हजार साकरपुड्या कडेन दियात म्हणटा. आतां आवय-बापायचेर ना तरी कशीं म्हणटली हो प्रस्न निर्माण जाता. कारण प्रस्न हो कुदांच्या इज्जतिचो आसता. समाजाक लागून, आनी समाजाच्या प्रस्नाक चलयेक फुडों करचो पडटा. लग्न मोडल्यार चल्याक कोण प्रस्न करचो ना. पूण चलयेक समाज पयली दोश दीता. चलेक दोशी दवरप हो समज समाजांचो जाता..

'पारजत' कथेंत निवेदकाची शेजान जीव दिवन मरता. एक बायलेन आपल्या भुरग्यांचो घोवाचो विचार करूक ना. म्हण लोक ते बायलेक दोश दिता, तिच्या बदल वायट विचार करता. 'घोव बायलेची झगडीं. ताणें तिचेर थापट फुलयलें म्हण तिणे जीव दिलो खंय, तांचे हालीं किसळिल्लें, उजो लेगीत वचनासलो दोगांमदल्यान. म्हाका दिसता, ती मातशी तशीच आशिल्ली. हाजे ताचे बरोबर नाचपी किट किटपी'[3]. ती बायल मेल्यां उपरांत लेगीत तिचेर प्रस्न करता. तिच्या चरित्राचेर भाशय करप जाता. त्या बायलेन हो निर्णय कित्यांक घतला आसतलो हांचो विचार कोण करी नात, कारण पुरुशप्रधान संस्कृतीन

दादल्यान कितें केल्यार जाता, पूण एक बायलेन कितें केले जाल्यार समाज तिचेर बोटा उखलपाक आनी तिचेर प्रश्न उखलपाक फाटीं रावाना.

बलात्कार जाल्या उपरांत एक चलयेचे पुराय आयुश बदलता. 'पावर कट' कथेंत निमाक ह्या अत्याचाराक समोर वयचें पडटा. निमाचो दोश नासतना ताका समाजाक नदर मेळोवपाक जमना. 'त्या कांय खिणांनी ताची धिंड काडिल्ली. सगळे कडेन ताचें, ताचें घराण्याचें नांव बदनाम जाल्लें. ताका, ताच्या घरच्यांक लजेक म्हारग जावन पडिल्लें हें सगळें हें भार नियमन ताका भयंकर म्हारग पडिल्लें'[4]. एक चलयेचे मन समजोन घेवचे सोडून तांचेर उलोवप चालू आसलो. समाजाचो विचार करून आनी आपल्या चलयेचे नांव आनीक पिड्यांर जातले कारणान तांचो बापुय लेगीत केस करपाक तयार नासलो. 'कोणाक थोड्यांक कळ्ळां तें कळूं. पूण पुलिशेंत कागाळ करून आपल्या हातान आपलेंच नांशें, जगाचें हांशें करून घेवंक तो कसचोच तयार नासलो'[5].

## 6.2 कुटुंबीक प्रस्न

बायलेक केन्ना देवी म्हूण पुज्य मानली, केन्ना घरांचो कारभार सांबाळपी घरकान्न मानली, केन्ना तिडक उक्तावपाक तिका एक साधन मानलें. पूण तिका केन्ना बरोबरची सुवात दिली ना. कुटुंबात वावुरतना बायलेक सगळ्यांचो विचार करचो पडटा. हो विचार करता आसतना ती स्वतांचो विचार करपाक फाटी पडटा. आपल्या घरांचो, संवसाराचो, आपल्या भुरग्यांचो विचार करून ती आपल्यो इत्सा आंकाशा मारून उडयता.

आपल्या पुताचो आनी आपल्या सूनेचो फुडार बरो जावचो ह्या उद्देशान आपले स्वताचे घर सोडपाक लेगीत ती फाटी रावना हे 'आंकवार-मोरी' कथेंतले सुमित्राचिया माध्यमातल्यान दिसता. तिणें आंकरवार मोरीची जीण जगलीं म्हणून समाजान तिकां

हिणसायलें, तरी लेगीत ती वोगी रावली. पूण आता प्रस्न तिच्या सूनेचो आनी तिच्या चेडूयाचो आशिल्लो. कुटुंबीक प्रस्न तिच्या मुखाप उबो जाल्लो. आनी सुमित्रा आपलो वितार करिनासतना, आपल्या सूनेचो आनी चेडूयाच्या संवसाराचो विचार करता. 'संवसाराच्या हो त्रिकोण हाडूया नाडूयार हें घर उबें आसा. म्हज्या पुताच्या सुखाक दाग लांगू नजो जाल्यार हांव ह्या त्रिकोनांतल्यान भायर सरूकच जाय'[6]. आपल्या सूनेच्या खोशय लागून आनी आपल्याक लागोन सूनेक त्रास जावचो न्हय म्हूण सुमित्रा आपले घर सोडपाक लेगीत तयार आसलें.

कितलीच चेडूवा आपल्या आवय-बापाय त्रास जावचो न्ही म्हणून आपल्या मायचे, घोवाचे त्रास सोंसता. समाजान आपल्या आवय-बापायक बोटा दाखवपाक जायना. म्हूण जें दूख आपल्या वाटूयांक आयलां तें सोंसता. 'कशीं रे पडली भूल' कथेंतले मेधा ह्याच परिस्थीक फुडो करताना दिसता. मेधाक आपल्या एकां निर्णयान आपल्या आवय-बापाक त्रास जावचे न्हय म्हूण ते आपल्या मनांतले आपल्या आवय-बापायक कांयच सांगीना. आपलें कुटुंब आनी आपलो संवसार सांबाळटा आसतना , ह्या सगळ्या गजालीचो विचार एक बायलेक करचो पडटा.

'पुतोंवाली' कथेंत बन्नो जेन्ना गुरवार जाता तेन्ना पयली तांच्या पोटांत चली वा चलो आसा हे पळोवप जाता. ते समज चली आसा जाल्यार ताका पोटांतून मारून उडोवप. आनी अशें तरेन तांच्या दोन चलेक मारून उडयलीं. आनी आतां चलो जावपाक जाय हाचो दबाव बन्नोचेर आसता. कुटुंबात बायलेचेर अश्या तरेची पिडापिड जाल्ली आसता. ह्या त्रासाचो जेन्ना एक बायलेचो सयम सोंपता तेन्ना ती बायल विरोध करपाक फाटीं रावाना. बायलेन आपल्या भुरग्यांचो विचार करचो वा आपल्या कुटुंबाचो हो प्रस्न तिच्या मुखार उबो जाता.

बायलेक लग्न केलां उपरांत ते बायलेचेर घोवाचो हक्क आसता असो समज समाजान कुटुंब वेवस्थेचेर घालून दिल्लो आसा. बायलेचो जाय तेन्ना जाय तसो वापर करून घेवप. बायलेचे मन समजनासतना तिचेर आपलो हक्क दाखोवप. आनी ती बायल लेगीत आपल्याचे हाशें जावचे न्हय आनी आपलो संवसार तुटचो न्हय. ह्या हावेसान आपली जीण सारयता. आशाच तरेची बायल 'बेनल्ल' कथेंतली वीणा. 'शोकेसींतली बावली जाल्या हांव जितो जागतो शोपीस कोणो नाशिल्ली बायल करून वडयल्या म्हाका ह्या घरांत. पयलीं मांय, नणंद आनी आतां हो घोव आनी भुरगीं चलयेक पूण म्हजें मन वळतशें धीरल्लें पूण ना कोणाक म्हजें पडिल्ले ना'[7]. आपल्याची ह्या घरांत कांयच किंमत ना अशें वीणाक दिसता. बायल जेन्ना रात -दीस सगळ्यांचो विचार करता तेन्ना तिकां लेगीत दिसता आपल्या मनांचो विचार कोणी तरी करचो पूण तशें जायना. वीणाच्या ह्या भल्ल्या घरांत तांचो कोण विचार करना. आपूण शोकिस्तिंतली बावली कशी ह्या घरांत आसता असो, वीणाक आपल्या अस्तित्वाचो प्रस्न पडटा.

'गिरेस्तकाय' कथेंत निकी तांच्या घरांत सगळें सूख आसता, निकी कामाक लेगीत वयतां. पूण हे सगळें आसून लेगीत तिका आपल्या घोवाचो सांगात जाय आसता. पूण नीटू कामांत वेस्त आसता. तांका निकी घरांत आसून लेगीत तो तांचे कडेन चड लक्श दिना. नीटूची निकि तांच्या वयली माया कमी जाल्ली आसता. एके बायलेक आवयपणांचे सूख हें खूब म्हत्वाचे आसता पूण नीटू भुरग्यांक जल्माक घालपाक तयार नासता. तो निकीक गूळ्यो घेवपाक लायता. निकि विचार करता आपल्या कडेन सगळें सूख आसून आपूण एकलेच जीण जगता म्हूण ताका दूख जाता. आपल्याक आवयपणांच्या सूखा पासून कित्याक पयस रावला हे ताका समजना. गिरेस्तकांयची तांका विट येता. आपले मनांतले ते नीटू कडेन व्यक्त करू शकना हाचे निकिक दूख जाता.

## 6.3 आर्थीक प्रस्न

बायलेन घर आनी काम सांबाळटा आसतना. घरांत कसले प्रस्न निर्माण जाल्ले जाल्यार तेच बायलेन आपलो कामधंदो सोडून घरांत बसचें अशें समाजाक दिसता. घोव-बायलेच्या कामाच्या बोवाळांत भुरग्यांची भावनीक परवड जाली जाल्यार आवय दोशी. असो समज समाजांत जाता.

बायल जेन्ना घर आनी काम सांबाळटा आसतना तिका घरचांची तशेंच आपल्या घोवाची मदत लागता. पूण ती मेळाना जाली जाल्यार तिच्या मुखार व्हडलो प्रस्न निर्माण जाता. आपलें काम सोडून घरां बसचें पडटा. दादल्याक बायलांनी काम केल्ले, वा आपल्याच्याकय बायलांनी फुडें गेल्ले पळोवपाक जायना. कारण पुरुशप्रधान संस्कृतायेचे विचार दादल्याच्या मनांत भुरगेपणांतल्यान मनांत तांच्या रूजू जाल्ले आसात.

'प्रॉब्लेम' कथेंत नीराचो घोव नीतीन ताका समजोन घेना. 'नीरा, तुकां हजारदां सांगला हांवें, हीं घरचीं काचकिसांवां म्हज्या म्हऱ्यांत हाडूं नाका म्हणून'[8]. भुरग्यांची जबाबदारी, आनी घरांची जबाबदारी एक बायलेचेर पडटाना तिच्या कामाचेर तांचो प्रभाव पडटा. तिच्या मुखार आपल्या भुरग्याक कोण पळयतलो हो प्रस्न निर्माण जाता.

'सांगशी पूण सांगू नज' कथेंत क्ष्वेतांक घर आनी काम सामळटाना नाका जातालें. तशेंच ऑफिसांतली किचकट काम करून ताका पुरो जाताले. घरा आयल्या उपरांत एक च्याचें कोप कोण तरी दितलो हांची आशा नासली. ताचों घर आनी काम सांबाळटा आसतना घुस्मटमार जाता.

'मीन' कथेंत शेंवत्याची घरची आर्थीक परिस्थिती बरी नासता म्हूण ते खणीचेर कामाक वता. गरीब परिस्थितीक लागून आनी पयशांची खूब गरज आसल्या कारणान तांका खणी वयलो मुकादम तांचो फायदो घेवपाक सोदता. मुकादमान पयशांच्या नाड्यार

कितल्याशाच गरीब चलयांक नाचयिल्ल्यो. पयशांक लागोन जे कितें तो करता ते शेंवत्याक मात आवडा नासले. शेंवतें तें काम सोडून शेतांत वावराक वता. पूण थंय लेगीत तशें घटा. भाटकाराची वायट नदर तांचेर पडटा. आनी तिनसांचे कोण ना ते पळोवन भाटकारान तांचेर हात घालता. शेंवत्याच्या आर्थीक परिस्थिचो फायदो घेवप जाता. बायलेचो फायदो करून घेवपाक समाज सदांच फुडें आसता. शेंवत्याक हे जाणवले आनी तांच्या आवयन तांका सागिल्लें 'बाय,घरान घर मातयेच्योच रान्नी पुता. तूं खंयूय बोस, काम करतल्याक मानान जियेवंक मेळप भोव कुस्तार. फूल फुललें म्हणटकीच थंय भोंवर येतातच. हात्या कणीस परमळ्ळें कीं थंय व्हडलें जिवाणें ठेयलेंलेच आसा'[9]. बायल जेन्ना काम करता त्या वेळार तिकां मानसिक वा भावनिक त्रास हो जाताच. बायलेच्या दुबळ्यापणांचो फायदो करून घेवपाक लोक केन्नाच फाटीं रावना.

## संदर्भ

1. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.पा. 17
2. वयलोच संदर्भ, पा. 12.
3. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा. 66.
4. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014. पा.17
5. वयलोच संदर्भ, पा.18
6. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.पा. 53.
7. दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016.पा. 141.
8. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.पा. 68.
9. दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020
10. आडारकार, नयना. बायल मनशेक समाज आदारान पळयता? संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-वर्स 9, अंक मार्च 2010पा. 5 .

# सातवें प्रकरण

निश्कर्श

आदारावळ

## 7 निश्कर्श

जयमाला दणायत ही कोंकणीतली जेष्ठ लेखिका. कथा, बालसाहित्य हे साहित्य प्रकार हाताळा आनी कोंकणीच्या दालनान आपल्या साहित्याची भर घातला. तांच्या चार कथा संग्रहाचो अभ्यास ह्या प्रबंधान जाला. तांच्या कथांनी चित्रायल्ली बायल प्रतिमा हो प्रकल्पांचो विशय जावन आसा. तांच्या कथांनी आयिल्ल्या बायल्याचें भावविश्व तिणें योग्य तरेन मांडला. एक बायल लेखिका आशिल्ल्यान तिणें बायलांचे उमाळें, तांची मानसिकतां योग्य तरेन अणभवला आनी आपल्या लिखणेतल्यान साहित्यकृतीन आस्पावित केला.

कथांनी सामाजिक, कुटुंबीक, आधुनिक विशय आयलां. तशेंच भुरग्यांचेर आधारिल्यो कथा आसा म्हणपाचे जाणावलें. भुरग्यांक मानसिक त्रास कसो जाता. आवय बापायच्या वागणूकेक लागून आनी तांच्यो आपल्या भुरग्यां कडल्यान आशिल्ल्या अपेक्शाक लागून भुरगीं कशीं चिडाता, त्या भुरग्यांच्या मनांची घालमेल बारावी, बॉन्साय ह्या कथांनी पळोवपाक गावलें. पाल, कावळो कावळी कथांनी मुक्या प्राणांच्या भितर जीव घालून तांच्या मनांचो, तांच्या विचारांचो सोद लेखिकेन घेतलां, मोनजाति लेगीत मनशांक वळखता, तांका पारखिता हे ह्या कथांनी आयले दिसता.

तांच्यो चडशेयो कथा ह्यो कुटुंबीक घडामोडणीचेर आधारिल्ल्यो पळोवंक मेळटा. तांच्या कथांनी बायलेची सूख-दूख, उमाळें, त्रास, आनी ती संकश्टाक कसो पुडो करता हे बरे तरेन चित्रीत केला. बायल ही जल्मा पासून सोशिक आसता. बायल मनीस आपले सूख-दूख, उमाळें, आपल्यो इत्सा-आकांशा व्यक्त करिना. बायलां चडश्या फावट दुसऱ्यांचो विचार पयली करता. पुरुशप्रधान संस्कृतीक लागून बायलांक दुल्कश करप जाता. तांच्या विचाराक, तांच्या मतांक कांय म्हत्व नासता. समाजांत वावुरतना तिकां समाजान घातिल्या

चौकटी भितर रावचे पडटा. जाल्यार कुटुबांत लेगीत आपली वेग-वेगळी रुपां सामाळून रावून वावुरची पडटा. एक बायल, आवय, धुव, सून, माय ही सगळीं रुपां सामाळून ती कुटुंबात वावुरता. तिकां आवय म्हणून मान समाज दिता पूण तिच्या हेर रुपांक फाव तसो मान मेळाना. बायलेची जीण ही फक्त घरांचे काम करपात असा असो समाजाचो समज जाला.

तांच्या कथांनी समाज, रूढी, घराण्याची प्रतिश्टा, आवय-बापायची अब्रु असल्या पांरपारिक विशयांनी कथा फुल्यां, बायलांची दुखां तांचेर त्रास तिणे कल्तमक रितीन मांडला. तशेच बायलांचेर समाजाकडल्यान, कुटुंबांकडल्यान दादल्याकडल्यांन तशेंच बायलांकडल्यान जावपी अन्यायाचें चित्रण, कथांनी चित्रीत जाला.

दादल्यांकडल्यान जावपी अन्याय, मुकटूयानी सोंसपी बायलो, घरांचे तोमणें आयकूपी तशेंच स्वताच्या पायांर उब्यो रावपी, कश्ट करपी, आपली मत्तां, आपले विचार मुक्तपणांत मांडपी आनी समाजाच्या विचारांच्या विरूध्द वचून आपल्यांक जाय तशें जीवन जगपी बायला कथांनी दिसता.

बायल जेन्ना आर्थीक नदरेन समर्थ जावपाक सोंदता तेन्ना तिका फाटी ओडप जाता. एक बायल मनीस आपल्या कुटुंबाचेर कसली संकश्टा येत जाल्यार त्या संकश्टाक फुडो करपाचे बळगें ती दवरता. अन्याय, त्रास, अत्याचार सोंसून जेन्ना एके बायलेची सहनशक्ति सोंपता तेन्ना ती बंडखोरपणांत त्या अन्याचो विरोध करपाक फाटी रावना समाजाचो विचार करिनासतना, लोक कितें म्हणटलें हो विचार करिनासतना, आपल्या स्वतांच्या स्वाभिमानाक लागून आपले घोवाचे घर सोडून येवपी, तशेंच घोवाचा, मायच्या अत्याचारांक विरोध करपी बायल तांच्या कथांनी दिसता.

आदले विसरून नवें सुरवात कशीं करची ही प्ररणा ही कथा दिता. एक अस्तुरेक सगळ्यां संकश्टाक कसो फुडो करचो तशेंच तांच्या भितर आत्मविशवास जागोवपाची प्रेरणा लेखिका दिता.

समाजाक देख दिवपी, तशेंच नवें विचार मांडपी कथा आसा. तांच्या चारूय कथांनी बदलता काळा प्रमाण कथांनी बदल जायत गेला. तशेंच तातून आधुनिकरणाचे विश्य हाताळा, समाजाची मानसित्का, तशेंच बायलांची विचार करपाची पद्दत लेगीत बदला कशीं दिसता.

कथेंत आयिल्ल्या पात्रांचो स्वभाव, तांचे सूख-दूख, संघर्श भेस तरेन मांणपाची कला लेखिकेत आसा. प्रतेक पात्रांचो गूण तांचो संवभाव मांडला. ती मागीर बायल पात्र, दादलो, भुरगों आदी.. सगळ्यो व्यक्तीरेखा सुदंर तरेन चित्रीत जाला.

वातावरणक, वा त्या प्रसंगाक सोपता तशीं भास लेखिकेन वापरलां. लेखिके कडेन एक ताची खाशेली बरोवपाची शैली, निवेदन आसा. तिणें सादे-सरळ सुटसुटीत भाशेन कथा मांडला. वातावरण निर्माण करपाची कला आसा, कल्पकता आसा, विशयांचो अभ्यास करपाची कला आसा. तिच्या कथेंत म्हणी वाक्यप्रचार हे आसात. त्या म्हणीनी एक नकळटा समाजाचेर टिकां लेगीत जाता.

जयमाला दणायतान आपूण अणभवले, पळयले विशय योग्य तरेन उगडपणांत मांडला. तिचे कडेन संवेदनशील मन आसा, दुसऱ्यांची भावना समजोन घेवपाची आनी ती मांडपाची तरां आसा. लोकांक योग्य मार्गान हाडपाची तांक तशेंच शिकवण दिवपाची लेखकनाची तरां लेखिके कडेन आसा.

## आदारावळ


1. दणायत, जयमाला. *कवासो*, मडगांव-गोंय: अजय प्रकाशन,1978.
2. दणायत, जयमाला. *सांज-सावळी*, पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, 2014
3. दणायत, जयमाला. झोंपाळो, केपें- गोंय : राजाई प्रकाशन,2016
4. दणायत, जयमाला. *मरण काळ*. सांगे-गोंय :संजना पब्लिकेशन, 2020.
5. दणायत, जयमाला.*करबट*. पणजी-गोंय: राजहंस वितरण, 1994.
6. दणायत, जयमाला. *आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं*. पर्वरी-गोंय :कमिनी किणी,2006.
7. दणायत, जयमाला. *सत्पक*. बाणावली-गोंय: हरी.गो. नायक, 1982.
8. दणायत, जयमाला. इंद्रधोणु. पणजी : राजहंस प्रकाशन, 1996.
9. दणायत, जयमाला. म्हातारी बुध्द. पणजी : राजहंस प्रकाशन, 1998.
10. बुडकुलें, किरण. *अक्षर सरिता*, 'कोंकणी कथेंचो प्रवास', आगाशीं गोंय : बिम्ब प्रकाशन, 2009.
11. वेरेंकार, श्याम. सरदेसाय, माधवी. म्हाळशी, कमलाकार.*कथा एक नियाळ* : कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003.
12. गांवकार, भालचंद्र. *साहित्याच्यो तरां साहित्य एकभासभास*.बेताडे-फोंडे-गोंय : प्रकाशक मित्र, 1998.
13. 12)गोमिश. डॉ ओलिव्हीनी. आयजी कोंकणी कथा, *कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास* : प्रकाशक ओवेलीन कुतीन्र्यु कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर- गोंय, 1989.
14. मावजो, दामोदर, कथा एक नियाळ. *कोंकणी भास. साहित्य आनी संस्कृती.* वेरेंकार, श्याम , सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकार( संपा मंडळ ), कोंकणी

भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विघ्यानगर, मंडगांव, गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003,23.

15.चोपडेकार, हनुमंत. समिक्षा एका साहित्य-साधकाची. दोंगरी-तिसवाडी : आलिना प्रकाशन, 2019.

16.बुडकुलें, किरण. *अक्षर सरिता*. आगाशीं गोंय : बिम्ब प्रकाशन, 2009.

17.चोपडेकार, हंनुमत.

18.नायक, हेमा. *सहजीवन संघर्श समन्वय आनी प्रतीमा*, 'बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य'- संध्या शेटये, फोंडे-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन,1989.

19.नायक, जंयती. कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा एक समाजीक-संस्कृतीक अभ्यास : गोंय विद्यापीठ.2000

20.नायक, जंयती. करणे खुंटी नारी. मंडगांव-गोंय : तन्वी प्रकाशन, 1992.

21.नायक, जंयती. लोकरंग. आमोणे-गोंय : राजाई प्रकाशन,2008.

22. नायक, जंयती. लोकबिंब. आमोणे-गोंय : राजाई प्रकाशन,2008.

23. नायक, जंयती. लोकमंथन, आमोणे-गोंय : राजाई प्रकाशन,2008.

**नेमाळीं**

1. आडारकार, नयना. बायल मनशेक समाज आदारान पळयता? संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-वर्स 9, अंक मार्च 2010 पा. 5 .
2. बोरकार ,दिलीप. जयमाला दणायत मायेस्त सभावाची गुणी लेखिका. बिम्ब-अंक फेब्रेर 2023 पा. 71.
3. थळी ,मुकेश . जयमाला दणायत-आर्गां . जाग-अंक फेब्रुवारी 2023 पा. 19.

4. म्हांब्रे,किरण. बायलांचे स्वांतत्र, सांपादक, दिलीप बोरकार, बिम्ब, वर्स-9, अंक 3 मार्च 2019
5. नायक, जंयती. कोंकणी लोकसंसकृतायेंत चित्रीत जाल्ली बायलमनीस. लोकरंग. मंडगांव : कोंकणी भाशा मंडळ,.
6. नायक, हेमा. अस्तुरेच्या पदरांत निर्बळेचें वरदान. संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-2010. पा.5
7. दणायत, जयमाला. बायलमनीस आयज खऱ्यांनीच स्वतंत्र आसा ?. संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-2010. पा.16.
8. आमोणकार, सुधा. आयची बायलमनीस आज खऱ्यांनी स्वतंत्र आसा ?. संपादक. दिलीप बोरकार, बिम्ब-2010. पा.11.

**मराठी**

1. गोखले, करूणा. सिमोन द बोव्हुआर द सेंकंड सेक्स, पुणे : पद्दगंधा प्रकाशन, 2010.
2. धागमवार, डॉ वसुधा. *भारतीय स्त्रीजीवन*, खटावाडी-मुबंय: मौज प्रकाशन, 1983.
3. मंदाकिनी, डॉ गीतावली. *स्त्रीप्रश्न सोडवताना*, पुणे : दिलीपराज प्रकाशन, 2009.
4. नाईक, शोभा. *भारतीय संदर्भातून स्त्रीवाद*, प्रभावदेवी मुबंई : लोकवागमयगृह, 2007.
5. भवाळकार, तारा. लोकपरंपरा आणि स्त्रीप्रतिभा. मुंबई : प्रकाशक विक्श्वासराव, 2008.

**हिंदी**

1) मलिका सेनगुप्त, *स्त्रीलिंग निर्माण*, गाजियाबाद : बाल साहित्य प्रकाशन, 2011.

2) डॉ विजयलक्षमी शर्मा, डॉ सुकृती मिश्रा. नारी चिन्तन के विविध आयाम, वाराणसी: भारतीय प्रकाशन, 2015

3) डॉ अनुभूति, नारी समस्याओं का समाजशास्त्रीय अध्ययन, बिजनौर:हिंदी साहित्य निकेतन, 2013.

4) हर्डीकर, आनंद. स्त्री विरूध पुरूश. पुणे राजहंस प्रकाशन, 2007

## संकेत थळां

1. https://gom.m.wikipedia.org.
2. https://m.facebook.com/AbhinavCreationzGoa/videos/%E0%A4%9C%E0%A5%87%E0%A4%B6%E0%A5%8D%.
3. https://www.danikgomantak.com.
4. https://www.pravakta.com/society-and-female/.
5. https://www.janasatta.cm/sunday-column/jansatta-article-about-women-empowerment-3/183798/.
6. https://www.jansatta.com/chopal/womans-place-2/2423485/lite/£amp_tf=from%20%251%24s&aoh=17131130113621&referrer=https%3A%2F%2Fwww.google.com.
7. https://www.quora.com/how-did-English-women-come-to-be-so-different-from-equivalent-words-in-the-other=Germanic-languages-is-woman-etymological-related-to-any-other-languages-s-word-foe-women.

# परिशिश्ट



**जयमाला दणायत**

**( 1947-2023 )**

परिश्ट 1

## कवासो सग्रंहातल्या कथांची पयली उजवाडावणी

जाती-भेद ( राष्ट्रमत-1971)

नोट चलयली ( राष्ट्रमत-1974)

ह्यास्त ( पुनव-1973)

कावळो-कावळी ( राष्ट्रमत-1972)

सूड (परमळ 1971)

आंकवार मोरी ( राष्ट्रमत-1971)

पाल ( पुनव-1973)

मामालें चली ( पुनव-1972)

प्रॉब्लेम ( कोंकणी-दिवाळी अंक 1977)

नागवणो ( कोंकणी-दिवाळी अंक 1976)

वॉर्ड नं.16 ( राष्ट्रमत-1976)

जल्मगांठी ( राष्ट्रमत-1976)

कवासो ( राष्ट्रमत-दिवाळी पुरवाणी 1970)

# सांज-सावळी सग्रंहातल्या कथांची पयली उजवाडावणी

मन दोशींवटेन ( सुनापरांत-चवथ अंक 2006)

पावर कट ( बारदेस- दिवाळी अंक 2006)

वाळवण ( कुळागर- दिवाळी अंक 2006)

शिरशिरता पावस यादींचो ( बारदेस- वर्सुकी अंक 2007)

बोकड बें बें ( सुनापरांत-चवथ अंक 2007)

ओन्ली हावसवायफ ( लामणदिवो - दिवाळी अंक 2007)

बदलतो काळ ( जैत - दिवाळी अंक 2007)

खुनी ( कोंकणी - दिवाळी अंक 2007)

नवें मोडण ( कोंकण टायम्स - दिवाळी अंक 2008)

मन-मळब ( सुनापरांत-चवथ अंक 2008)

सांज-सावळी ( बारदेस- दिवाळी अंक 2008)

रुपडें ( बिम्ब - दिवाळी अंक 2009)

सँडवीच ( बारदेस- दिवाळी अंक 2009)

प्रॉमिसरी नोट ( जाग- दिवाळी अंक 2009)

घोंगो (सुनापरांत- दिवाळी अंक 2009)

जळटा ताका कळटा ( जाग- दिवाळी अंक 2010)

खट ( कोंकणी - दिवाळी अंक 2010)

सृजन शक्त (सुनापरांत- दिवाळी अंक 2010)

पोरेस्तकाय ( बिम्ब - दिवाळी अंक 2010)

फुलोंवाली ( कोंकण टायम्स - दिवाळी अंक 2011)

आंगोस्तर ( समकालीन कोंकणी लघुकथा 1998)

**झोंपाळो सग्रंहातल्या कथांची पयली उजवाडावणी**

झोंपाळो (सुनापरांत- चवथ अंक 2004)

सांगशी पूण सांगूं नज ( कोंकणी वर्सुकी अंक 1983)

कालाय तस्मै नम ( जाग - दिवाळी अंक 2011)

गर्भवाळटी ( कोंकणी वर्सुकी अंक 1988-99)

कशी रे पडली भूल ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1989)

पारजत ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1990)

बॉन्साय ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1993)

ताची इत्सा ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1994)

सुकती केळ ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1997)

विधीलिखीत ( कोंकणी वर्सुकी अंक 2000)

फुलपांखे (सुनापरांत- चवथ अंक 2005)

पार ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1986)

बेनल्ल ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 2000)

बिट्याबिटें ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1993)

आली रे सांज आतां ( कोंकणी - दिवाळी अंक 1981)

## मरण काळ सग्रंहातल्या कथांची पयली उजवाडावणी

गोंयडोळ ( कोंकणी – 1982)

लग्नबंध ( बिम्ब- दिवाळी अंक 2011)

मरणकाळ ( बिम्ब- दिवाळी अंक 2002)

सार्थक ( कोंकणी- दिवाळी अंक 2004)

रश्मी-गांठ ( वांगडी- 1981)

अडेभामा ( कुळागर - दिवाळी अंक 1982)

हुंवार ( व्ही.एम.साळगांवकार प्रतिशठान )

बारावी ( कोंकण टायम्स- दिवाळी अंक 2006)

गाभ ( कुळागर - दिवाळी अंक 1980)

मीन ( वांगडी )

मनांत शिंवरलें चान्नें ( चित्रंगी - दिवाळी अंक 1991)

एक जीण खीण खीण ( सुनापरान्त )

लग्नसंस्था ( सुनापरान्त )

मनांत पडली पाल ( सुनापरान्त )

सोव्हिनीर ( सुनापरान्त 2014 )

## पुस्तकां

### कथा संग्रह












## बालसाहित्याची पुस्तकां










## निबंद संग्रह






